प्रेमजागोर

प्रदीप नायक

रंगमेळ, गोवा कला अकादमी निर्मित–
'प्रेमजागोर' (1999)...

कलाकार : काशिनाथ मयेंकार आनी सपना नायक.
फाटल्यान कांता गावडे आनी वाद्यवृंद



कलाकार : मुखेल गावपी कांता गावडे, ताचे वांगडा लाडू गावडे, मधु गावडे,
शशिकांत गावडे आनी बाकिचे.

प्रेमजागोर

पुंडलीक नारायण नायक

हांगेलीं रंगमाचयेर आयिल्लीं नाटकां

1)	खण खण माती	1977
2)	रक्तखेव	1978
3)	राखण	1979
4)	देमांद	1980
5)	मुक्तताय	1980
6)	सूर्यसांवट	1981
7)	शबै शबै भौजन समाज	1981
8)	सुरींग	1982
9)	मनशाळी मोनजात (रुपांतरीत)	1982
10)	पिंपळ पेटला	1984
11)	श्री विचित्राची जात्रा	1986
12)	दायज	1990
13)	चैतन्याक मठ ना	1991
14)	आत्मवंचना	1992
15)	परिक्रमा	1993
16)	दिश्टदौलत	1995
17)	तकली तड्डकी (रुपांतरीत)	1998
18)	तिरंगी चक्राचक्री	1998
19)	प्रेमजागोर	1999
20)	शिरी रे शिरी! अधांतरी!	1999
21)	काळजाची काणी	2000
22)	प्रेमयुद्ध	2000
23)	दिव्या दिव्या दिपत्कार	2000
24)	अंता घरा भगवंता	2001
25)	कांसुलो	2002
26)	धनयां देंवचारा	2003
27)	चित्र स्वयंवर	2003
28)	सांगोड	2004
29)	चतुरंगा	2005
30)	कथा अस्तुरी	2008
31)	फिंर्गी फटास	2011

चत्राय : नाटकाच्या मुखावयलें वर्स, नाटक रंगमाचयेर आयलां तें वर्स.

प्रेमजागोर

पुंडलीक नारायण नायक

अपुरबाय प्रकाशन

वळवय - गोंय

PREMJAGOR Konkani Play
by PUNDALIK NARAYAN NAIK

© हेमा पुं. नायक

प्रकाशन क्र. : 78

पयली उजवाडावणी : 2011

उजवाडावपी :
हेमा पुंडलीक नायक
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय, फोंडें,
गोंय : 403 401

छापपी :
हिरू नारायण नायक
रुतू ऑफसेट,
वळवय, फोंडें,
गोंय : 403 401

अक्षर जुळोवणी :
रिया ग्राफिक्स
ओल्ड-गोवा,
गोंय : 403 402

मुखचित्र :
श्रीधर कामत बांबोळकार

मोल : रु. 100/-

ISBN : 81-86488-78-2

चत्राय :
ह्या नाटकाचो प्रयोग, रुपकार, अणकार, ध्वनिमुद्रण, चित्रिकरण आदि सगळे तरेचे हक, हेमा पुंडलीक नायक हांचेकडेन आशिल्ल्यान ते खातीर तांची लिखीत मान्यताय घेवप गरजेचें आसा. ना जाल्यार कायदेशीर कारवाय जातली.

मा. नरहरीबुवा वळवयकार

भुरगेपणांत म्हाका तुमी,
तुमी 'वाजयताले' त्या नाटकांनी
पदां बरोवपाक लायताले
आनी मागीर म्हणटाले, 'शाब्बास!'
मास्तर,
ती शाबासकी आजून फाटीर
तशीच आसा.
तुमचे यादीक !

-पुंडलीक नायक

जागोर जागयताना...

'प्रेमजागोर' ही पयलीं हांवें बरयिल्ली कथा. हांवें ती कोंकणी आनी मराठींत बरयली. त्यो कथा नेमाळ्यांनी उजवाडाकूय आयल्यो.

ज्येष्ठ नाट्यकर्मी श्री. वसंत जोसलकार त्या काळार (1999) कला अकादमीच्या रंगमेळचे मुखेली आशिल्ले. तांचेच सुचोवणे वयल्यान हांवें हे कथेचें नाट्यरुपांतर केलें. तातूंतय ताणी कांय बदल सुचयले. ते स्वीकारिल्ल्यान नाटक अदिक प्रभावी जावपाक पावलें.

आदिंसावन म्हाका 'जागोर' ह्या लोकनाट्याचें आकर्शण. ताचें पयलें कारण म्हणल्यार कोंकणी नाटकाचें तें मूळरूप. दुसरी गजाल म्हणल्यार अंत्रुजेंत दर वर्सा कर्मळें, आपें, प्रियोळ, वेलंगा अशे जायते कडेन जागोर जातात. वर्साक एक-दोन जागोर सहज पळोवप जाता. तातूंत जागोर लोकनाट्य प्रकाराक गोंयांत तशेंच गोंयाभायर प्रतिशठा मेळोवन दिवपी श्री. कांता गावडे म्हजो इश्ट. वो म्हणूं येता, जागरा खातीरूच आमची दोगांयची इश्टागत. जोसलकार सरांचो नाटकाचो प्रस्ताव हांवें स्वीकारलो तो कांताच्या भरवंशाचेरूच. नाटकांत म्हजेच सुचोवणेवयल्यान सगळी संगीताची बाजू कला अकादमीन कांताचेर घातली. कांतान ती यसस्वीपणान पेल्ली. कांताच्या आदारान हांवें नाटकांत मूळ जागराचे चालीचेर गितां घडयलीं. पूण गितां नवे चालीन रचप आनी नवे चालीन गावप हें म्हज्या आनी कांताच्या आवाक्या भायलें काम आसलें. हांवें रचिल्लीं गीतां जागराचे शब्दशैलीक मुदयेर थीक कशीं जुळपी आशिल्लीं, अशें हांव खोशयेन आनी अभिमानान म्हणपाक शकतां. म्हज्या नाटकांतलीं कांय गितां हेर पारंपारिक जागरांनी गायतात. आपलें साहित्य लोकसाहित्यांत वो लोकनाट्यांत पावप ही लेखकाखातीर भाग्याची गजाल आसता.

सतीश गवस हाणी दिग्दर्शीत केल्ल्या ह्या 'प्रेमजागोर'चे प्रयोग गोंयांत बरेच गाजले. लेखन, दिग्दर्शन, कलाकार, तंत्रज्ञ आनी जोसलकार सरांचे खास मार्गदर्शन अशें तें मिस्त्रण आसलें. सर्वसादारण नाटकापरस ह्या नाटकाचो अवधी बरोच उणों आशिल्ल्यान प्रेक्षक कांयशे निरशेताले पूण त्याच बरोबर उण्या अवधीक लागून हें नाटक गोंयां भायर महोत्सवांनी व्यवस्थीत उठून दिसतालें. भारत महोत्सव नवी

दिल्ल्ली (2000), राष्ट्रीय महोत्सव - नेहरू सेंटर मुंबय (2001) हांगासरल्या भौभाशीक नाट्यमहोत्सवांनी ह्या नाटकाचे यशस्वी प्रयोग जाले. पंडित भास्कर चंदावरकर सारख्या विख्यात संगीतकारांनी तें तोखेलें.

'प्रेमजागोर' नाटकाच्या निमतान जागोर लोकनाट्य चळवळीक गोंयात एक गती आयली, ही एक आनीक जमेची बाजू. 'प्रेमजागोर' नाटकांत वाजोवपाचें काम करपी ज्येष्ठ जागर कलाकार श्री. लाडू गावडे हाका गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाचो लोककला विभागांतलो राज्य सांस्कृतिक पुरस्कार लाबलो. हांवें आनी कांतान जागोर लोकनाट्य कलाकारांच्यो बसका, चर्चा घडोवन हाडल्यो. तातूंत महेश गावडे हाणी प्रेरणा घेवन पयलो अखिल गोंय थरावयलो जागोर महोत्सव पिजगाळ (2010) हांगासर घडोवन हाडलो. आतां दर वर्सा हे महोत्सव गोंयांत वेगवेगळेकडेन जातात.

एके चर्चेवेळार ज्येष्ठ जागोर कलाकार श्री. बाबुसो गावडे हाणी म्हणिल्ल्या उतरांची म्हाका याद जाता. ताणी म्हणिल्लें, "'प्रेमजागोर' सारखे नवे नवे जागोर येवपाची गरज आसा. तेन्नाच जागोर तिगतलो." म्हजे खातीर हो सगळ्यांत मोलाचो अभिप्राय आसलो.

'प्रेमजागोर' नाटकाच्या संवादांत 'मुक्तक'चो वापर हांवें केला. मुक्तक म्हणल्यार कविते सारखो प्रकार. मुक्तक हें नांव हांवेंच कल्पीलां. गद्य संवादापरस वेगळे शैलीन तो सादर जांवचो अशी दिग्दर्शक-कलाकारांकडल्यान अपेक्षा आसा. ह्या नाटकांत बाबुराय, मोगा, दादी ह्या पात्रांच्या तोंडांत ही मुक्तकां आसात. म्हज्या 'शिरी रे शिरी! अधांतरी!' आनी 'चतुरंगा' ह्या नाटकांनीय अशा मुक्तकांचो वापर जाला.

आयज बऱ्याच काळान 'प्रेमजागोर' पुस्तक रुपान उजवाडाक येता. म्हजे नाट्यलेखन यात्रेंतलें तें 19 वें पेणें.

ह्या नाटकाचेर ल्हान-व्हड सिनेमा करपाखातीर म्हजेकडेन प्रस्ताव येता. म्हाकाय ताचेर फिल्म जाल्लें जाय पूण म्हाका ताकतिक ना. 'प्रेमजागोरा'क न्याय दिवपी दिग्दर्शक आनी निर्माती लाबल्यार तशें घडूं येता.

- पुंडलीक नारायण नायक

'प्रेमजागोर' नाटकाचो पयलो प्रयोग, कला अकादमी, गोवा हांगेल्या 'रंगमेळ'चे वतीन, ता. 28 एप्रील 1999 दिसा, सां. 7.00 वरांचेर, पणजे, कला अकादमीच्या मा. दिनानाथ मंगेशकर कला मंदिरांत जालो.

श्रेय नामावळ

1. दादी	:	काशिनाथ मयेंकार / ज्ञानेश्वर पार्सेकार
2. बा	:	स्वप्ना सिनारी
3. मोगा	:	शुभांगी बर्वे
4. बाबुराय	:	श्रीकांत गावडे
5. देमू	:	निलेश महाले
6. येसो	:	विश्वास च्यारी
7. जागरांतलें सवंग–गराशेर	:	गोविंद शिरोडकार / काशिनाथ मयेंकार ज्ञानेश्वर पार्सेकार
8. जागरांतलें सवंग–फिंर्गीण	:	संध्या परब
9. जागरांतलीं सवंगां	:	बाबलो नायक, शिवनाथ नायक
10. मुखेल गावपी	:	कांता गावडे
11. कोरस	:	उदय धुपकार, मीलन वायंगणकार, बाबलो नायक, संध्या परब, मनिषा पेडणेकार, शिवनाथ नायक, जवाहर बर्वे, राजेंद्र महाजन, व्यंकटेश नायक, विश्वास च्यारी

दिग्दर्शन आनी नेपथ्य	:	सतीश गवस
रंगमेळ मुखेली आनी खाशेलें मार्गदर्शन	:	वसंत जोसलकार
माची मांडावळ	:	संदिप कळंगुटकार
संगीत आनी कॉरिओग्राफी	:	कांता गावडे
सहाय्यक	:	लाडू गावडे, मधू गावडे, व्यंकटेश नायक, शशिकांत गावडे
प्रकाश येवजण	:	अविनाश च्यारी
सहाय्यक	:	संजय मापारे
वेशभुशा, रंगभुशा आनी रंगमाची सामुग्री	:	प्रेमानंद पोळे
सहाय्यक	:	उदय धुपकार, गोविंद शिरोडकार, नामदेव गांवकार
रंगमाची व्यवस्थापक	:	राजेंद्र महाजन
माहिती पुस्तिका–कला निर्देशन	:	निलेश महाले
निर्मिती व्यवस्थापक	:	व्यंकटेश नायक

पात्रांची वळख

1.	दादी	–	घरकार, मोगाचो बापूय
2.	बा	–	दादीची घरकान्न, मोगाची आवय
3.	मोगा	–	दादी आनी बालें तरनाटें चली
4.	बाबुराय	–	मोगाचो मोगी, शेजारी
5.	देमू	–	मोगाकडेन लग्न जावपाक सोदपी तरनाटो
6.	येसो	–	देमूचो इश्ट
7.	कुळागरांतलीं कामेऱ्यां	–	
8.	गावपी–वाजोवपी विविध सवंगां नाचपी पंगड	–	
९.	गांवातलो लोक	–	

देखाव : एक

(गांवांतलो मांड. सगळो मांड पानां-फुलांनी शिरंगारला. पयसुल्ल्यान वाजप आयकूंक येता. घुमटां आनी धमको-डब हांचेवयलें वाजप. कांय वेळान वाजोवप्यांचो पंगड एक भोंवर मारून मांडाचेर येता. पंगडांतले लोक सणापरबेचीं न्हेसणां न्हेसल्यात. पंगडाच्या मुखार आशिल्ल्या मनशाच्या दोनूय हातांत पेट्टी दिवली आसा. तो दिवली हाडून मांडार दवरता. दुसरो एकलो दिवलेक गंधफूल करता.इतले म्हणसर वाजोवपी पंगड आपणाल्या वाद्यांसयत मांडार बसता. बसपाक चुट्टां-मल्ला हातुरल्यांत. दिवलेक गंधफूल करतकूच कपलाक तिबें लायता. मांडाचें आशिकुशीक आशिल्ल्या लोकांच्या कपलाकूय तिबें लायता. सगळे दिवलेक नमस्कार करतात. वाजोवपी पंगड मांडाच्या गुरुक होगयता.)

मांडाच्या गुरू म्हाज्या नाच रे नाच
रोयणींतल्या देवा तुजी सुवर्णाची कात

पयलो मान तुकां देवा मानाचो तिबो
फळाक व्हरोंक कार्यें देवा मांडाचेर उबो

कितलो देखणो, आमचो राखणो, तूं रे वांठारो
तुज्याच नांवान धोलता देवा, आमचो पेटारो

(मांडाच्या गुरूचें संवंग मांडार येवन नाचता. मांडाचो गुरू म्हणजे जाग्याचो सोरोप अशी कल्पना. मांडाचो गुरू नाचून वतकूच वाजोवपी पंगड नमन गावन गणपतीक होरायतात. गणपतीचें सवंग मांडार येवन नाचता. वांगडा रिद्धी आनी सिद्धी आसात. गणपती एकाच पांयाचेर नाचता जाल्यार रिद्धी सिद्धी दोनूय पांयांचेर. त्याच तालार हुंदीर (हुंदराचें सवंग केल्ले) हांगा थंय हुळहुळटा.)

म्हाज्या गणेशा गणराया
पाव गा धा जाणांच्या कार्या

रिद्धी सिद्धी त्यो संगती
तुज्ये कृपेन फळटा माती

देवा हुंदराचेर बसकण
देवा चंद्राचेर रागवण

म्हाज्या शंकराच्या पुता
मांडार नर्तन करता

देवा नाचता एका पांयांरी
म्हाजो खेळ येता रंगारी

(गणपती रिद्धी-सिद्धी आनी हुंदीर नाचून वतात. पंगड 'प्रेमजागोर' चें आख्यान सुरू करता.)

मोग रुजिला झाडांनी,
मोग वाडिला माडांनी

मोग देखिल्ल्या लोकांनी,
हो प्रेमजागोर रचिला होऽऽ

मोग जाल्लो चरांनी,
मोग केल्लो पोरांनी
मोग करित्या मोगीनो,
हो प्रेमजागोर तुमचो गाऽऽ

मोग व्हांवत्या पाटांनी,
मोग व्हांवत्या लोटांनी
मोग करित्या मोगीनो,
हो प्रेमजागोर तुमचो गाऽऽ

(काळोख)

देखाव : दोन

(सुवात उजळटा. थंय कुळागर दिसता. माडयो आनी केळी. मांडयांचेर पानवेली. मर्दी एका चरान कुळागराचे दोन वांटे केल्या. एका वाट्यांत बाबुराय हातांत कल्लें घेवन कुळागर शिंपता. बाबुराय पंचविशेक वर्सांचो जुवान तरनाटो. कमराक वालको. वयलें आंग उकतें. वाजपाच्या आनी गावपाच्या तालार बाबुरायाचे शिंपणे चालू आसा.
वेळ – सकाळचो.
इतल्यान मुखावयल्यान मोगा येता. मोगा तरनाटी जुवान चली.

बाबुरायाचे पिरायेचें. घागरो-पोलको असो ताचो भेस. ताच्या हातांत कल्लें आसा. तें आपणाले कुळागर शिंपपाक दुसऱ्या वाट्यांत आयलां. न्हीदसुरें आसा. बाबुरायाक ताचीं फकाणां मारपाची कूय येता. तो कल्ल्यांत अचळय उदक काडून ज्यूस्त मोगाच्या तोंडार मोखता. तेसरशीं मोगा भानार येता.)

मोगा : (रागान) बाबुरायऽऽऽ

(बाबुराय व्हडल्या व्हडल्यान हांसता. मोगा केळी आनी माडयांच्या आडसाक दडपाचो यत्न करता पूण बाबुराय ताचेर एकसारखें उदक मोखीत रावता. मोगा "बाबुरायऽऽ बाबुरायऽऽ अश्यो आड्डी मारीत रावता आनी निमाणे धांवून पयस वता.)

(काळोख)

देखाव : तीन

(घर म्हणल्यार घराचो फुडलो भाग. आंगण आनी पडवी. पडवेर दाणी लांबता. तिचेर कांबळ, तुवाले, कपडे वडयल्यात. आंगणात सुपारी सुकत घातल्या.

वेळ – तोच, सकाळचो.

दादी, मोगाचो बापूय आनी बा, मोगाची आवय दोगांय आंगणांत वावर करतात. दादी चाळीस पंचेचाळीस पिरायेचो जाल्यार बा ताचेपरस कांय वर्सांनी ल्हान. दादी वालो न्हेसला. बाचो भेस कापड आनी पोलको असो. दादी सभावान रागीश्ट तितली बा सभावान मोवाळ. बा आंगणांतली सुपारी चाळटा जाल्यार दादी सुके पिराडे उबे करून एकीकडे दाळटा. इतल्यान

धोंपरावयर घागरो खोवन मोगा धांवत येता. आंगणांतले सुपारेचेर पांय पडून निसरून पडटा. बा कांचवेता.)

बा : मोगाऽऽ

दादी : (काम करता थंयचो वळून) पडलें? काय घालून घेतलें? दोकोबीन मोडलो मुगो? (पिराडो उखलून) मोडूना जाल्यार घालतां मोडून.

बा : (दादीक) तूं आनी एक दादलो! मेल्ल्याक आनीक मारतलो.

दादी : (बेपर्वायेन) मरुंना मुगो?

बा : (मोगाक उखलीत) कसलें धाडावलें पोर तोरंगीचो धोडो कशें! कशें जातलें बाये तुजें! तुज्या घरांत तूं पडटा-धोडटा, परक्या घरा कशें नंदतलें पोरा?

दादी : असल्या लक्षणांनी आवय-बापायचें नाक कातरतलें.

मोगा : बा, हें कितें करता?

दादी : (सुपारी चाळीत) तुजें कर्म!

बा : (ताका नियाळीत) आगे म्हाजे बाये! इतलें भिजलें खंय गो?

मोगा : बा, तेणें म्हाका भिजयलें.

बा : तेणें? कोणे गो?

(दादी दुबावान पळयता.)

मोगा : ना बा, पावस पडलो.

दादी : पावस? खंयचो पावस? पावसाक आजून म्हयनो आसा. आनी पावस थंय तूं कुळागरांत गेल्लें थंयच पडलो? हांगा आंगणांत पडलो ना? बास्कळ! (मारपाक पिराडो उखलता.)

मोगा : ना दादी, कितें जालें जाणा? शिंपण्याचो पावस पडलो. शिंपता शिंपता कल्लेंच परतलें. आनी सगलें उदक माथ्यावयल्यान आंगार पडलें.

बा : तुकां कल्लेंय धरपाक कळना?

दादी : कुळागरी मनशाचें चेडूं तूं.

तुकां कळना जाल्यार फायच्यान शिंपण्याक वचपाची गरज ना.

हांगासर घराकडेन कितेंय काडये-बडयेक आदार कर.

मोगा : ना दादी, फाल्यांसावन सारकें शिंपता. (विसरायेर घालपाक) जाणां दादी, पणसा-आळी कडली केळ व्हियेल्या.

दादी : बरें आसा.

मोगा : फाटल्या दिसानी व्हियेल्ली पळय, तीच केळ परत व्हियेल्या.

दादी : तीच परत व्हियेल्या?

मोगा : हय. खरेंच. देवाचो सोपूत!

दादी : खबर केळीची काय गायची?

मोगा : केळीची.

दादी : पिशें!

बा : तकलेन सारकें आसा मगो तूं? काय घुंवलां? कुडकुडटा पळय पारव्याचो पोर कशें! चल, कपडे बदली. (मोगा दाणयेवयलो सुकत घातिल्लो घागरो - पोलको काडटा.)

मोगा : (आपलेभितर) बाबुराय, तुजें पाड पडों रे!
(मोगा कपडे घेवन भितर वता. दादी आनी बा उलयतात.)

दादी : आतां मातशें धुवेचेर लक्ष दवरी.

बा : तेका कितें, व्हटयेंत घालून भोंवूं?

दादी : व्हटयेंत घालून भोंव नातर हांडीर मारून भोंव, पूण अशें पारपोळ कशें वाऱ्यार सोडूं नाका.

बा : बांदून घालचें पडलें.

दादी : घाल बांदून.

बा : बांदून घालपाक तें कितें गोरुं?

दादी : गोरुं न्हू जाल्यार हांगाथंय विडविडटा कित्याक? एका जाग्यार बसपाक कळना? अकस्मात कोणूय येयलो जाल्यार जाग्यार मेळचें ना.

बा : कोण कित्याक येतलो?

दादी : (चाळोवन) तुकां पळोवंक येतलो!

बा : कोण येयना.

दादी : आब्बा! कित्याक येवचोना?

बा : कोणूय येयलो जाल्यार तुजो हो आवाज आयकोन फाटल्या पांयान परततलो. तुजो अवतार आनी पळोवपाक रावचोना. उलयिल्ल्या उतरार तापप आनी तीडप. थंडसाणेन म्हण कितें सांगप ना.

दादी : (रागान पिराडो उखलीत) चुतडा, म्हजो सभाव वयर काडटा? तुजी-आवय आनी धुवेची केन्ना अपुरबाय करिना हांव? वेळावेळ वखद-विर्सद करता काय ना? सणापरबेक कापड-फाळी हाडटा काय ना? काल्या-जात्रेक व्हरता कांय ना? सांग. उलय गो. अपुरबाय करता काय ना?

बा : हातीच्या कांकणाक हारसो कित्याक? ही दिसता न्हू! ती तरसाद फाटीं काड.

(दादी पिराडो कुशीक वडयता.)

दादी : (लाडांत येवन) तुजी अपुरबाय करूं?

बा : पुरो पुरो. खरें दिसत कोणाय लोकांक.

दादी : लोक-ओक गेले खळांत. तुका खरें दिसल्यार पुरो मोगाचे आवय. वगांची वरां तुजी अपुरबाय करपाक शकतां, मात तापनासतना, तीडनासतना. वीस वर्सांआदीं मोगाच्या जल्माआदीं करतालों तशी अपुरबाय.

बा : सल्ले ते दीस. त्या दिसांचे भांगर जाले.

दादी : मोगा जालें!

बा : आतां तुकां तें शक्य ना.

दादी : कितें शक्य ना?

बा : तेन्ना तू कवळो आसलो देखून मोगाळ आसलो. आतां जाला जून आनी रातची आंबीलूय लागता तुकां हून.

दादी : बांद कर तुजीं फालां. मनांत हाडल्यार आतांच म्हज्यान तुज्या पांयांमदीं हुळहुळपाक जाता माजराचो पेटो जावन.

बा : भंगलो तूं! तुजें मन पडलें व्हाळांत.

दादी : व्हाळांत कित्याक? तें आजूय आसा, तुजेभोंवतणी.

(दादी रंगार येता. नाचून गावपाक लागता.)

दादी : **माथ्याक घेवन मोव मोव इलुदाची उशी**
राणये तुकां गोपांत घेवन करतां खुशी

(बा ताका गावनूच जाप करता.)

बा : **भंगलो म्हाजो राजा रे थंड जालें पाणी**
उडून गेलो कीर आतां धोलता दाणी

(अकस्मात दादीची नदर बा चाळटालें त्या बेडकांचेर वता. ताका राग येता.)

दादी : हें कितें?

बा : बेडकां.

दादी : तीं दिसता म्हाका, दोळे फुटोना म्हाजे आजून. हे तन्ने बेडे कोणे पाडले?

बा : माकडान.

दादी : खंयच्या माकडान?

बा : माकडाक नांवां आसतात?

(दादी बाचेर पिराडो उखलता.)

बा : माकड रानाकानांतलो न्हू.

दादी : म्हणजे?

बा : घरांतलो माकड.

दादी : म्हणजे मोगान हे तन्ने बेडे पाडले?

बा : काल एक कातरो काडलो कोंचून.

दादी : म्हणजे माडयेचेरुय चडलें?

बा : सदांच चडटा. सकयल रावून दिसलो खंय पिकला म्हणून- वयर चड जाल्यार तन्नो.

दादी : तन्नो म्हण कळ्ळो मूं? मागीर काडलो कित्याक?

बा : तें विचार तेकाच.

दादी : विचार म्हणजे सोडटां काय कितें? कसो झोड काडटां पळय. जल्माची याद उरतली. (बाक) तूं मदीं पडूं नाका. (हातांत पिराडो घेवन मोगाक उलो मारता) मोगाऽऽ

(मोगान दुसरे कपडे घातल्या. तें रागान भायर येता. मुखार दादी. तें दादीचेर व्हडलें लक्ष दिना. कांय न्हय करून दादीच्या हातांतलो पिराडो आपूण आपल्या हातांत घेता आनी आपल्याभितर उलयता.)

मोगा : सोडटां काय कितें! कसो झोड काडटां पळय. जल्माची याद उरतली.

(दादी मुखार येता.ताका कडेक काडून) तूं मदीं पडूं नाका. (पिराडो घेवन आंगणातल्यान धांवता. बाक दिसता, मोगा सुपारेचेर निसरून पडटलें. बाक कल्ल जाता. तेसरशीं ती आइडटा, पूण मोगा सुपारेवेल्यान उडकी मारून वता. दादी तसोच पळयत उरता. बा दादीकडेन पळयता आनी धुवेन ताका चक्रायलो म्हणून तार्ची फकाणां मारून हांसता. दादीक राग येता. तो रागान हातांतलो पिराडो बाचेर मारपाक उखलता जाल्यार हातांत पिराडोच ना म्हणपाचें ताच्या लक्षांत येता. पंगड गायता.)

मोगाक जेन्ना येता राग,
मोग तेन्ना जाता वाग
मोग करित्या मोगीनो,
ही कसली पीडा सांगा होऽऽ

(काळोख)

देखाव : चार

(कुळागर. आपल्या वाट्यांत बाबुराय उबो आसा. तो चराकडेन येवन मोगाक उलो मारता.)

बाबुराय : मोगाऽऽ मोगाऽऽ

(कांय वेळान ल्हवपीक पावलांनी मोगा, बाबुरायाच्या फाटल्यान येता. हातांत पिरोडो आसा. तें फाटसून पिराडो जोखीत येता आनी धप्प करुन बाबुरायाचे फाटीर घालता. तेसरशीं बाबुरायाचो तोल वता. तो मुखावयल्या चरांत पडपाचो पूण सांवरता आनी दांग मारुन चर हुपता. दुसरेवटेन पावता. मोगा आपूणय चर हुपून दुसरेवटेन वता आनी परत ताचे फाटीर पिराड्याचो धपको घालता. अशीं दोन-तीन खेपो दोळगांय चराचेर दांगो घालतात.)

बाबुराय : मोगाऽऽ मोगा तूं कितें करता?

मोगा : व्हदळ तूं कितें करतालो? तुयें म्हाका भिजंयलें कशें? व्हदळ न्हिदेंत आशिल्लें म्हणोन सुटलो तूं. आतां बरें सडसडीत जागें जावन येयलां. दादीन आनी बान म्हाका कसलें उलोवन खाल्लें. आतां हांव तुकां खातां.तरी बाबुराया, नशीब तुजें. हांयें तुजें नांव सांगलेंना. नातर दादी तुकां चिरपाचो आनी ह्या चरांत घालून पुरपाचो. म्हाज्या दादीक वळखना तूं. दादीक वळखना आनी म्हाकाय वळखना. दादी रागाक धा पटीन वायट जाल्यार हांव रागाक शंबर पटीन वायट. कळ्ळें? बाबनील्या बाबुराया?

बाबुराय : (हाय हुय करीत) कळ्ळें. सामकें कळ्ळें, दादील्या मोगा.

मोगा : आतां हत्तपार म्हाजे वाटेक वयचोना. समजलें?

बाबुराय : समजलें.

मोगा : तुजी वाट वेगळी, म्हाजी वाट वेगळी. समजलें?

बाबुराय : समजलें.

(मोगा वचपाक वळटा. इतल्यान -)

बाबुराय : मोगा -

मोगा : आतांच सांगलें मरे. तुजी वाट वेगळी, म्हाजी वाट वेगळी.

बाबुराय : मोगा, तुजो राग आजून वचोंना?

मोगा : ना.

बाबुराय : कितें करुं?

मोगा : म्हाका खबर ना.

बाबुराय : जाणा मोगा!

मोगा : अं,

बाबुराय : फाल्या कितें सांग.

मोगा : फाल्यां कितें म्हणजे? आयच्या सारकें फाल्यां. असोच दीस. असोच उजवाड. अशेंच वारें. अशेंच कुळागर आनी आयच्या सारकें म्हाका भिजयलें जाल्यार फाल्यां तुकां अशेच लडे!

बाबुराय : मोगा, फाल्यां गांवचो जागोर.

मोगा : म्हाका खबर आसा.

बाबुराय : मोगा, जागराक येतलें मुगो?

मोगा : जागोर गांवचो, धा जाणांचो. गांवच्या जागराक म्हाका आपोवपी तूं कोण?

बाबुराय : म्हाजें तुकां खाशेलें आपोवणें.

मोगा : हांव येवपी न्हूं.

बाबुराय : कित्याक?

मोगा : कितें आसा तुज्या जागरांत? दर वर्सा तींच तींच संवंगां! नवें म्हणोन कांयच ना.

बाबुराय : ना? नवी उमेद आसता ती. करतल्याकूय उमेद, पळयतल्याकूय उमेद. वगीच सगळो गांव लोटोन वचना. पूण मोगा, तूं

जाय.

मोगा : आनी हांव येंयलेंना जाल्यार?

बाबुराय : हांव जागरांत नाचपी न्हूं.

मोगा : आवयस्! सगळो गांव तुकां बुड्डून खातलो.

बाबुराय : खांव!

मोगा : नाका रे बाबा! नाच तूं तुजें दांडलायवयलें सवंग.

बाबुराय : जाणा मोगा, अंदू हांयें बरी येसाय माल्ल्या. आनी काल जाली गॅर्रा-येसाय. गॅर्रा-येसायेक हांव असो नाचलों - फोबोड्डार! मोगा, येतलें न्हू जागराक?

मोगा : हांव येयना जाल्यार तुजो जागोर जाता?

बाबुराय : (उमेदीन) खरेंच? (ताच्यालागीं येता. ताका हात लावपाक सोदता. इतल्यान)-

मोगा : एऽऽऽ

(मोगा कुशीक सरता आनी हांसत हांसत एका तालार उडक्यो मारीत वता. त्याच तालार जागराचें वाजप सुरू जाता)

देखाव : पांच

(मांड. तोच मांड. मांडाचेर जागोर सुरू जाता. एक सवंग माथ्यार तुरमुटी दवरून गावन नाचता.)

नमन माजेंऽऽ मांडाच्या गुरू
नमन माजेंऽऽ सांतेरी माये
नमन माजेंऽऽ देंवचारा देवा
नमन माजेंऽऽ रौदिऱ्या देवा
नमन माजेंऽऽ गांव पुरसा देवा
नमन माजेंऽऽ सर्वय देवांक
नमन माजेंऽऽ बसलेले सभेक

(जागोर पळोवपी एक एकलो मांडार येता. दादले एकेवटेन उबे रावतात जाल्यार बायलो दुसरेवटेन येवन बसतात. कांय जाण हातांत कट्टेंत मेणवातीचे कुडके पेटोवन घेवन येतात. मांडार पावतकूच फूक मारून मेणवाती पालयतात. कांय जाण पेट्टयो चुडी घेवन येतात. मांडार पावतकूच चुडी जमनीक तेंकोवन पालयतात. पळोवंक येवपी बायलांनी आपआपलीं बसपाचीं आसनां हाडल्यांत. कोणे ल्हव्याची शेंदरी जाल्यार कोणे पोंवल्यांची हातरी हाडल्या. कोणे चादर, कोणे साक आदि. आसनां हांतरुन बायलो तांचेर बसतात. मांडावयले वाजप चालू आसा.)

(घर. मोगा नवीं मुस्तायकी घालून जागराक वचपाक तयार जालां. भायर रावन पासयो मारता. दादी आनी बा आजून भायर सरपाचीं आसत.)

(काळोख)

देखाव : स

मोगा : (ताकतीक करुन) बा, दादी, कितलो वगत जालो, आजून तुमचें भायर सरोन जायना. तेवटेन जागोर सुरू जालो.

बा : (भायर येत-तिवूय नवी न्हेसणां न्हेसल्या.) मोगा, मातसो थार धर. ल्हान भुरग्याभशेन हुतहुतेपणा कितें करता? जागोर सुरू जालो जाल्यार जावं दी. रोकडो सोंपपाचो काय ना. फांतोडमेरेन चलतलो.

मोगा : आनी मदलीं संवंगां चुकलीं जाल्यार?

बा : चुकलीं जाल्यार कितें जालें? एक चुकल्यार दुसरें मेळटलें.

मोगा : आनी जाय तेंच चुकलें जाल्यार?

बा : खंयचें जाय तेंच?

मोगा : (गडबडटा. विशय बदलता.) हो दादी आनी एक.
(उलो मारुन) दादीऽऽ भायर सरता काय तुकां भरभरीत ओडून व्हरूं?

बा : आयज बापायचेरुय तापपाक लागलें.

मोगा : मागीर कितें तेकाच तापपाक कयटा?

बा : ताप बाये ताप.

मोगा : (रागान) दादीऽऽ

दादी : (भायर येत. हातांत पेटिल्लो लापयांव आसा) मोगा, कसली ताकतीक गो? आमी जागोर पळोवपाक वयता न्हू, नाचपाक थोडीच वयता. ही लांपयांवाची वात सारकी करतालों, ते खातीर उशीर जालो. चला. (मोगाचेर नदर पडटा. लापयांव ताचे म्हऱ्यान व्हरता आनी ताका अपुरबायेन नियाळटा.)

दादी : मोगा, जागराक वयता काय संयवराक गो?

बा : तुजे धुवेक तूंच दीश्ट लाय.

मोगा : तुमी म्हाजीं फकाणां करशात जाल्यार हांव तुमचे वांगडा येवचें ना आं. एकलेंच काळखांत वयतलें.

दादी : खबर आसा, आतां तुकां बांदून घातल्यार लेगूत तूं हांगा रावचें ना.

बा : तेका केन्ना काय जीव मांडार घालीनसो जाला.

दादी : जागराची ओडूच तशी. चला, चला.
(दादी एका हातांत लापयांव आनी एका हातांत दांडो घेता. तिगांयजाणां मांडावटेन चलपाक लागतात.)

(काळोख)

देखाव : सात

(मांड. वाजप चालू आसा. मांडाचेर मोगा आनी बा येतात. तीं दोगांय बायलो बसल्यात थंय वतात. मुखार बा वता फाटल्यान मोगा. मोगाचे वाटेर दोन तरनाटे आड येतात, देमू आनी येसो. दोगूय सादारण एकेच पिरायेचे. पूण बाबुराया परस व्हड. देमू पान खावपी जाल्यार येसो सिगारां फुसकावपी. हे काल्या-जात्रांनी भोंवपी आंबटशौकीन म्हणल्यार जाता. दोगूय मुद्दाम मोगाची वाट आडायिल्लेभशेन करतात. मोगा तांकां बदना. तें वचून बायलांमदीं बसता. मोगा येनाबरोबर कुशिच्यो बायलो आनी चलयो ताचीं फकाणां मारतात. ताच्या भेसाची, ताणे घातिल्ल्या अळंकारांची तूस्त-तोखणाय करतात. मोगा तांचेमदीं भरसता, हांसता, किटकिट्टा. देमू आनी येसो कुशीक उबे रावन उलयतात. इतल्यान दोग जाण येवन एक सवंक नाचता. दोगांयनी एकेच तरेचो पारंपारिक भेस केला. दोगांयच्या हातांत कागदी फुलांच्यो दोन रंगीत बडयो आसात.)

दोगूय : **म्हाजीं गोरवां चरता मळार**
म्हाका मेळ गो एकटें व्हाळार

तुकां कितले घातले उले
उल्यांनी धांवोन गेले कोले

शिर्कलीं गोरवां वालिंनी
आमी गो बसूंया झिलिंनी

म्हाज्या गोगरवांक खावनी वागान
आमी रावंया हांगां मोगान

(दोगूय नाचून भितर वतात.)

येसो : देमू, तूं पान खायत राव. आयज जागोर रंगतलो. सुमाराभायर रंगतलो. फांतोड मेरेन हांगच्यान हालपाक नाका. मांड दवरुनूच घरा वयपाचें.

देमू : आमी मांड दवरुंपाक जागराक येयल्या तर?

येसो : हो मांड दवरता तो निमाणो. आतां धडो लागतलो.

देमू : म्हणजे?

येसो : आरे, आतां परत-परत हांगाथंय जागराक वचपाक नाका. ह्या जागराक काम जातलें.

देमू : अशें म्हणटा? खंयचें रे?

येसो : आनी खंयचे? व्हदळ वाटेर आडखळेंना, तळयेंतली दाणय कशी? तेंच. (मोगाक पळयत) मात हेवटेन पळयता जाल्यार पळय.

देमू : तें दंगलां जागरांत (अदमास घेवन) आतां दांडलावयलें सवंग येवपाचें जालें.

येसो : आमी हांगां हातीपायांनी धडधाकट आसतना हेका दांडलावयलें संवंग कित्याक?

देमू : (मोगाक नियाळीत) यशा, जिवाच्यान सांगतां, हें जर मेळटा आसत जाल्यार हांव हेच्या बापायचें घर फुकट मदेरार करपाक तयार आसां. (याद जावन) आयिद्दयांची पोती आसा! मरे

जाग्यार?

येसो : (पोती दाखयत) आसा, आसा. तेच्या बापायचें घर मदेरार करचेपयलीं तेच्या बापायची वासपूस करची पडली ना?

देमू : येशा, कितलेंय मोल फारीक करचें पडल्यार जाता, मान बागोवन नाकूय घशट्रूचें पडल्यार कमा येता. पूण हो माल उबारपाचो.

दादी : (तांचेमदीं येत) उबारपाक कितें पिड्डुककारांल्या माणावयली बावली?

येसो : बावली न्हू देखून इतलो वगत रावले, नातर येन्ना उबारल्याच. न्हू रे देमू?

दादी : जिबेक हाड ना म्हण कितेंय उलोंव नाका. म्हाजें चेडूं तें.

येसो : अशें? सुंदर आसा. न्हू रे देमू?

दादी : तो देमू, आनी तूं कोण?

येसो : हांव येसो (दादीक) सिगार ओडटालो? घे.

दादी : नाका, म्हाजेकडेन इडी आसा.

देमू : पान खातलो?

दादी : नाका.

येसो : खरेंच, तुमचें चेडूं दीश्ट लागपाइतलें सुंदर आसा. न्हू रे देमू?

दादी : तें तेगेले आवयचे बडीर गेलां.

येसो : (त्या निमतान मोगाक आनी दादीक नियाळून आडेचे तोखणायेन) आवयचे कित्याक? तें बापायचेय बडीर गेलां. न्हू रे देमू?

देमू : (मान हालोवन) हय हय.

येसो : मागीर देमू, मदेरार करुंया मरे हेगेलें घर?

दादी : कोणालें घर मदेरार करता? आनी मदेरार करपाक तुमी कोण?

येसो : तशे आमी कुळागरी. पूण होवूय जोडधंदो करता, मेस्तपणाचो. हो देमू खांपो मेस्त. आतांय म्हण आमी कामाक आसले. काम सोपोवन भायलेभायर जागराक येयले. तसो आमी एकूय जागोर

चुकयना.

देमू : हो जागोर तर कसोच चुकोवपी न्हू.

येसो : आतां ह्या जागरान प्रश्न मिट्टा जाल्यार आनीक जागोर कित्याक जाय? कितें देमू?

दादी : म्हणजे फकत जागराचें निमित्त?

देमू : तुमकां आनीक सांगपाक जाय? तुमी आमचेपरस धा पावसाळे अदीक पळयल्या.

दादी : (खोशयेंत) जालेंच. केंस कितें वोतान पिकनात, अणभवानूच पिकता.

येसो : मागीर दादी, कितें करुंया?

दादी : उलोवंया.

देमू : खरेंच?

दादी : खरेंच म्हणजे?

(मुक्तक - वेगळेच शैलीन)

आरे, पोरसांतले फूल फुलता तेन्ना धायदिकां परमळटा.
परमळ तेजो पाटल्यापोंदा धापून घालूंक जायत?
येतले चारुय दिकांचे भोंवर,
काडटले पोरसाभोंवतणयां घुंवडाळ्यो,
तेंकां दांड्यान मारुंक जायत?
पोरसांतलें फूल खुंटपाचे आसा,
कोणाच्यातरी गळ्यांत बांदपाचें आसा.
पोरसाच्या धनयान तें आपलें म्हणूंक जायत?

देमू : (भुल्लूसून) दादी, केन्ना उलोवंया?

दादी : तुमकां जाय तेन्ना, पूण हांगा मांडार न्हू, घरा. आमी अब्रुचीं मनशां. आमचें अब्रुचें चेडूं.

(इतल्यान फोगोट्यांचो गडगड जाता. मांडाचेर दांडलावयलें थोटीचें सवंग येता. हें संवंग बाबुराय नाचता. बाबुरायान एका पांयाक दोनेक फूट लांबयेचो दांडो बांदला. ताका लागून तो एका पांयान थोंटो दिसता. भरजरी पोशाक घातला. तो

काणयेंतल्या एखाद्या राजकुंवरावरी दिसता. वाजपाच्या तालार तो दांडलावयल्या एका पांयार नाचता. गायता आनी नाचता. सगळे लोक चकाचूर जावन ताका पळयतात. मोगा सामकें भुल्लुसलां.)

एका पांयाचो थोटी,
म्हाजी उमेद कितली मोटी

घर चार चौक्यांचें,
घर म्हाज्या बापायचें

कुंभानी पिकता रे,
म्हागेर तुंबानी रकता रे

सभेक मारीना फटी
देंवोन येयलां दोंगर-घांटी

आयकोलां तें खरें,
मांडार चेडवांचें भिरें

चंद्रिमाची सुंदराय,
तसलें चेडूं जाय

मेवळें रे मेवळें
चेडूं तन्ने कंवळें

(काळोख)

देखाव : आठ

(घर. वेळ सकाळचो. मोगाची बा आंगणांत सारण मारता. दादी पडवेर बसून विडी ओडटा. भायर देमू आनी येसो येतात. येशाच्या हातांत मेस्तपणाच्या आयिद्‌दांची पोती आसा. देमू पान खाता जाल्यार येसो सिगार ओडटा. ते आंगणात येता तेन्ना बा एकठांय करून भायर वडयता तो कोयर तांच्या आंगार पडटा. ते आंग फाफुडटा. दादीक राग येता.)

दादी : आगो, आगो पापणी, दोळे फुटल्या तुजे? कोयर तेंच्या आंगार वडयलो मुगो. मातशी मान वयर करुन सारण मारपाक कितें धाड भल्लेली तुकां? (बाक आपली चूक कळटा. मान सकयल घालून ती भीतर वता)

दादी : (मुखार येत) यो, येशा यो. यो देमू. (तो येशाक देमू आनी देमूक येसो लेखता.)

येसो : जाणां दादी–

दादी : (अजापान) दादी? हय. म्हाका दादीच म्हणटात.

येसो : हांव येसो आनी हो देमू.

दादी : बरें आसा.

देमू : सारण मारताली ती?

दादी : मोगाची आवय.

देमू : बरोबर. घराची कळा आंगण सांगता.

येसो : (देमूक) हांयें तुकां सांगोक नासलें? धुवेचें नांव मोगा.

दादी : हय. मोगा.

(दादी तांका बसपाक कांबळ हातुरता.)

दादी : कसो जालो जागोर?

देमू : जानोत!

येसो : इतले जागोर पळयले पूण असलो जागोर केन्ना पळयलोना.

दादी : आमच्या जागराची सर बाकीच्या जागरांक ना.

देमू : (मोगाचो अदमास घेत) खरेंच ना.

दादी : मोगा न्हिदलां.

येसो : जागराचें जागरण न्हू! न्हिदपाचेंच.

देमू : तशी आमकांय न्हीद येताली पूण तुमचे धुवेक पळयली आनी न्हीद खळ्ळी.

(दोगूय निलाजरेपणान हांसतात.)

दादी : बरें उलयतात तुमी.

येसो : आतां ताकाक येवन गाडगो कित्याक लिपोवपाचो, न्हू रे देमू?

दादी : एक सांगात-

येसो : एक कित्याक धा इचारात.

दादी : तुमचेमदलो लग्नाक तेंकला तो कोण?

येसो : दोगूय.

दादी : तें दिसताच. पूण मोगाकडेन कोण लग्न जावपाक सोदता?

येसो : कोणूय.

दादी : (रागान) कोणूय म्हणजे कितें रे? तुमी सोयरीगत घेवन येयल्या काय घर मदेरार करपाक?

येसो : दोनूय करुंया.

देमू : (मुखार येत) दादी, हांव, हांव मोगाकडेन लगीन जावपाक सोदतां.

येसो : हय. देमू लग्न जाता जाल्यार म्हाका आनीक लग्न नाका. हांव रावन असोच. देमू म्हाका अंतर दिना तशें मोगानूय म्हाका

अंतर दिना जातकूच जालें.

(दादी येशाकडेन देमूची खबर विचारता.)

दादी : घरा कोण कोण आसा? आवय-बापूय?

येसो : कोण ना. सगळीं मेलीं.

दादी : सोयरी-धायरीं?

येसो : ना, तींवूय चडशीं मेलीं.

दादी : गोरवां-वासरां?

येसो : सगळीं मेलीं.

दादी : (रागान) असल्या मेल्ल्यांच्या घरांत हांव म्हाजे धुवेक दिवं?

देमू : दादी, तो आपली गजाल सांगता. म्हजो आवय-बापूय सोयरी-धायरीं, गोरवां-वासरां सगळीं जितीं आसात. शिवार शेत आसा. थोडें मरड रोयतां. नाचणो-पाकोळ रोयतां. कुळागराचे दोन दाणे आसा. आनी जोडधंदो म्हण मेस्तपण.

(दादी खुश जाता. येसो त्याच नेटार दादीक म्हणटा-)

येसो : आतां उलय.

(येसो आनी देमू उमळशिकेन रावतात.)

दादी : म्हाका शिंपण्याखातीर दोन बरीं कल्लीं जाय आसलीं.

देमू : कल्लीं? हांव करून दितां. खूब जाणांक हांयें करून दिल्यांत.

दादी : तुजी फेती फारीक करुंया.

देमू : कांय गरज ना. तुमी फकत लाकूड दियात. हांगासरूच बसोन करतां. दोन कित्याक तीन करचीं, तिगांक तीन जालीं.

दादी : नाका, नाका दोन पुरो. एक आसा.

येसो : दादी, कल्लीं जालीं. आतां मुखार?

दादी : मुखार? (हांसत) शिंपणें!

येसो : खरेंच?

देमू : मोगाक हांव राणी कशी दवरतलों.

दादी : तें आसाच राणी. (बाक उलो मारीत) मोगाचे आवयऽऽ (बा

येता.) तुयें आयकलां न्हू सगळें?

बा : सगळें आयकोना पूण अदमास बांदला.

दादी : रातीं जागराक सावन येतना तुकां सांगतालों ती हेंची खबर. (उलयता उलयतां येशाचेर हात पडटा. मागीर भानार येत) हो सिगारवालो न्हू आ, हो पानवालो.

(बा लजता.)

येसो : आवय इतली लजता जाल्यार धूव कितली लजतली!

दादी : (बाक) चल, मातशें मोगाक उठय.

बा : उठय? उठपाक न्हिदलां तर तें?

दादी : मागीर खंय गेलें?

बा : आसतलें कुळागरांत.

दादी : हांव तेका पळोवन येतां. तुमी बसात (बाक) तेंकां च्याव कर.

देमू : हांव लागतां कामाक.

बा : कसलें काम?

देमू : कल्लीं करपाचें (दादीक) म्हाका मुणी दाखय.

दादी : राव मातसो, पयलीं मोगाक पळोवन येतां.

(हातांत दांडो घेवन दादी कुळागरावटेन वता.)

(काळोख.)

देखाव : णव

(कुळागर. बाबुराय आनी मोगा उशेणाचे धडेर बसून गजाली करतात. बाबुराय उशेणांतल्या उदकांत शेंकरे मोखता.)

मोगा : बाबुराय, तुजें दांडलावयलें संवग म्हाका भौच मानवलें.

बाबुराय : खरेंच?

मोगा : जिवाच्यान तर. काय बरें मूद घातलेलें रे तुयें? तुकां तें बरें दावता. पयलीं कसलो भंय दिसलो जाणा? आतां म्हणलें, तूं दांडला वयल्यान पडटा.

बाबुराय : शे! तसो हांव पडपाक येयलां?

मोगा : पूण एका पांयार नाचप म्हणजे फकाणाचें काम न्हू.

बाबुराय : कसल्याय कामापरस मूद चडोवन म्हाका थोटीचें संवंग नाचपाक आवडटा. हांव नाचतां तेन्ना ध्येयभान विसरतां. ह्या संवसारांत नासतांच म्हणल्यार जातां. खंयच्यातरी वेगळ्याच अप्रुपाच्या संवसारांत पावतां.

मोगा : आनी तूं आसताय तसो, जमनीपासून कितलोतरी वयर.

बाबुराय : जिवाक चुटमुटे पडटा. हो जागोर वर्सांतल्यान फकत एकदांच येता. आतां बद्द फुडल्या वर्सां.

मोगा : तुजी इत्सा आसल्यार तुयें अर्दीमदीं केन्नाय नाचोंक जाता.

बाबुराय : एकलोच नाचूं? आनी पळयतलो कोण?

मोगा : हांव.

बाबुराय : फकत तूं?

मोगा : हय. फकत एकलेंच. म्हाजेखातीर तूं नाचता तें पळोवपाक आवडटलें. नाचतलो?

बाबुराय : पूण नाचतलों कसो? पांयांक दांडो बांदपाक नाका?

मोगा : दांडो कित्याक बांदपाक जाय? म्हाजेखातीर नाचता न्हू? मागीर पांय धर्तरीचेर दवरून नाच. पळय. (मोगा एक पांय धोपरांकडसून फाटल्यान दोडटा) आनी आतां नाचपाचें. (नाचत) लाऽऽ लाऽऽ लाऽऽ (एका पांयार नाचता ताचो तोल वता. तें उशेणांत पडपाक आनी बाबुराय ताका सांवरता.)

बाबुराय : कसलें पडटलें आसलें जाणा? हांयें घट धरलें म्हण...

मोगा : खरेंच पडपाचें न्हू?

बाबुराय : इचारता आनी?

मोगा : (ताणे घट धरलां तें पळोवन) आतां पडना मरे? सोडल्यार जाता. (बाबुराय ताका सोडटा. ताका सोडपाचें न्हय म्हणपाचें मागीर बाबुरायाच्या लक्षांत येता. तो परत ताका धरपाक सोदता. मोगाकडेक पळटा. कांय वेळ दोगांयचो धर-पकडचो खेळ जाता. मुक्तक)

मोगा : *धर म्हाका धर.*
आळवाच्या पानावयलो निसट्टो थेंबो हांव
चिमटेंत धरून उबार
गुतून गळ्यांत हार कर
धर म्हाका धर.

फांतरावयल्यान कोंसळपी वझऱ्याची हांव धार
लकलकीत तरसाद
कातरून वतलो, कडेक सर
धर म्हाका धर

खांदयेवयल्यान उडणां मारपी धिटूक-शिटूक चानी हांव
तुज्या काळजाचें कल्ल फोडूंक
लार्गी म्हाका कर
धर म्हाका धर

(बाबुराय मोगाक धरपाचो यत्न करता. इतल्यान दादीचो उलो आयकूंक येता, 'मोगाऽऽ' तेसरशी दोगांय कांचवेता.)

मोगा : दादी! दादी येता दिसता. आमकां दोगांकूय पळयल्यार वगी रावचोना. तुकां सोडचोना.
(दादीचे उल्यार उले आयकूंक येता. दोगांय काचाबूल जातात. थंयसावन पळून वचपाचो यत्न करतात. पूण तें शक्य जायना तेन्ना दोगांय चरांत घालून घेतात. दोगांय आंग चोरून एकीकडेन बसून रावतात. दादी दांडो घेवन कुळागरांत येता. हांगा थंय

भोंवता. तीं दडल्यांत त्याच चरावयल्यान दांग मारुन पलतडीं वता. परत तशीच दांग मारुन आलतडीं येता आनी मागीर आयिल्लो तसो परत वता. वाजोवपी पंगड गीत गायता.)

चरांत पडल्यां तीं–ना–ना मोगांत पडल्यां तीं
शेणांत पडल्यां तीं–ना–ना मेणांत दसल्यां तीं
चुलांत पडल्यां तीं–ना–ना फुलांत पडल्यां तीं
काळखांत पडल्यां तीं–ना–ना साळकांत दडल्यां तीं

(दोगांय चरांतल्यान ल्हवू ल्हवू वयर सरतात आनी दोशीं वशीं वतात.)

(काळोख.)

(घर. वेळ रातीची. आंगणांत सुपारी सोलपाचो वावर चलला. बा आनी आनीक दोगी–तिगी बायलो आदोळेचेर बसून सुपारी सोलतात. दर एकलेच्या मुखार सुपारेच्यो राशी आनी पाटल्यांनी सोलिल्ली सुपारी आसा. दादी सुपारी हाडपा–व्हरपाचें काम करता. बा मोगाक उलो मारता.)

बा : मोगा, बाय एके आदोळेचेर बस मुगो. कामाची तितलीच संवकळ जातली.

(मोगा येवन एके आदोळेचेर बसता. सुपारी सोलपाक लागता.)

बा : (बाकीच्या बायलांक) आगो, तोंडाक गुड्डे लावन मोन्यानी कसलो वावर करता? कितें गाया–बिया मुगो.

पयली : खरें तुजें मोगाचे बा. कामाक काम जालें, वेळाक वेळ गेलो.

दुसरी : तशें जाल्यार तूंच कर सुरवात.

पयली : हें बरें तुमचें. हांयें तोंड उकतें केल्यार म्हाकाच तोंडाक लायलें.

तिसरी : कोणेतरी सुरवात करपाकूच जाय न्हू?

मोगा : (पयलेक) साईत्रेमावशे, तूंच गाय. तूं बरी गायता.

दुसरी : मोगान फर्मायतकूच साईत्री रावता?

तिसरी : जागरांतलें गीतबी गायशी.

दुसरी : गायल्यार कितें जाता?

तिसरी : मोगा नाचपाक लागतलें.

(सगळीं हांसतात. सावित्री होंवयो गावपाक लागता. बाकींची तिचेवांगडा म्हणटात.)

सावित्री : आई–बापाचे पोटी,
जल्मली गे बेटी
धनाची गे पेटी,
बाळ मोगा आमचें

दुदाचे शिंपण,
मायेचें लेपण
एक एक सोंपण,
चडटा मोगाबाय

चिंबानी भरता पाणी,
माणकुली मोगाराणी
फाटीर धोलता वेणी,
तिका रेशीमी गे गोंडे

तन्नेपणा येता भार,
दुदाक गेली यॅर
न्हाती–धुती ही केळ,
तिका आळें धरा

घडया सत्वर,
मोगाचें सयंवर
एक एक कुंवर,
येतलो धोणू घेवन

दादी : वा! तुमी लग्नांतल्यो होंवयो गावपाक लागलीं!

पयली : खऱ्यांनी गायता तेन्ना गायता.

दुसरी : गावपाची येसाय तरी जाली.

तिसरी : सादी येसाय न्हू. गॅर्रा-येसाय.

दादी : तुमची गॅर्रा-येसाय फुकट वयचीना.

तिसरी : म्हणजे?

दादी : म्हणजे कितें? तुमकां बेगीनूच लग्नांतल्यो होंवयो गांवच्यो पडटल्यो.

दुसरी : कोणाचें लगीन?

पयली : कोणाचें गो मोगाच्या बा?

बा : इचारा तेकाच.

दादी : दुसऱ्यांल्या लग्नाच्यो गजाली हांव कित्याक करतलों? हांयें म्हाज्या भुरग्यापुरतें उलोवपाचें.

पयली : म्हणजे लगीन-

बा : मोगाचें. आमकां कितें धा भुरगीं आसा तर?

दादी : मांडावयल्याची किरपा म्हटल्यार जाता?

पयली : चेडो भुरगो कसो आसा?

दादी : धा गुणांचो. हाती पांयान घटमूट. शेताभाटांत वावुरपाक जाणां. शिवाय मेस्तपणांत फिशाल.

तिसरी : आवयस! आनीक कितें जाय?

दुसरी : आतां आमच्यो आदोळ्योबी मोडल्यार पर्वा ना. न्हू गो मोगा?

मोगा : (किळांच मारून) बा गेऽऽ

बा : मोगा, कितें जालें?

तिसरी : आदोळी लागली.

पयली : आवयस! रगत पळय कशें उशेणांतलें उदक कशें फसफसता!

दादी : (बाक) तुकां बायलेक पयलीं अक्कल ना. तेका आदोळेचेर बसयलें कित्याक? (सगळी मोगा भोवतणयां एकठांय जातात. ताका उपाय करतात. ताका भितर व्हरतात. वाजोवपी पंगड गायता.)

आदोळी लागली हातीक
ना गे लागली कवळे कातीक
रक्ताचे हे व्हाळ थांबोवपाक
खंयचें आतां पाळ
गुपाट काळखांत घुस्मट्टा गे
म्हैमोगाचें बाळ

(काळोख)

देखाव : इकरा

(कुळागर. सकाळचो वेळ. मोगा सदचेभशेन कुळागरांत आयलां पूण चित्त थाऱ्यार ना. चलत चलत चराकडेन येता. दांग मारून चर हुपपाक सोदता. पूण धीर खचला. तशेंच रावता. जीव गळसणला. थंयच चराचे धडेर बसता. सपनेता. ताका भास जाता. मुखार चरांतल्यान देमू उबो जाता.)

देमू : मोगाऽऽ

मोगा : कोण?

देम : वळखलेंना मोगा?

मोगा : वळखलें. तुज्या किडयाळ्या दांतांवयल्यान वळखलें. देमू.

देमू : आतां ना वळखून कशें जातलें? आं?
(पिच्च करून थुंकता. मोगा आंग काडटा.)

मोगा : शीऽऽ बुरसो खंयचे कडलो. म्हाज्या आंगार थुंकशी.

देमू : शे शे तसो धनर न्हू हांव मोगा. हांव बरो रितीचो आनी शिस्तीचो मनीस. पूण तुकां पान खाल्लेलें आवडना जाल्यार पानूच खायना. त्या वाट्याचें आनीक कितेंय खातां. कितें खांव?

मोगा : (आपले भितर म्हणटा) शेण खा.

देमू : तुकां कितें कितें आवडना तें सांग.

मोगा : म्हाका तुजे दांतूय आवडना. चंवरां करपतात तशे ते किडेल्यात.

देमू : काडून वडयतां.

मोगा : बोचरो जातलो.

देमू : (बोचरेपणान) जांव, मोगाखातीर हांव कितेंय करपाक तयार आसां. तुकां म्हाजें कितें कितें नाका तें सांग. नाका तितलेंय निखळावन वडोवंया.

मोगा : खरेंच?

देमू : खरेंच. हया जिवाचो सोपूत. सांग तूं.

मोगा : तशें जाल्यार हो तुजो उजवो हात नाका. दावोय नाका. हे पांयूय नाका. हें नाक नाका, कान नाका, दोळे नाका, हो वयलो तकलोच नाका.

देमू : (निरशेवन) सगळें नाका? मागीर तुकां जाय तरी कितें?

मोगा : तुजें काळीज जाय.

देमू : (ताका बरें दिसता.)

मोगा : काळीज जाय. चुलींत घालून भाजून खावपाक जाय, पेज्जेवांगडा.

देमू : मोगाऽऽ म्हाजीं फकाणां करता? पूण मतींत धर. हांव तुजेकडेन लगीन जातलों म्हणजे जातलों. हांयें जागराच्या मांडार तसो सोपूत घेतला.

मोगा : हायेंय सोपूत घेतला. (विशय बदलून) देमू, तुकां जागोर आवडटा?

देमू : खूब आवडटा. रातभर एका जाग्यार उबो रावन हांव आख्खो जागोर पळयतां.

मोगा : तुकां जागरांत नाचपाक कळटा?

देमू : ना. पूण हांव सगळे जागोर पळयतां. गराशेर, पार्वते, निखणडार सगळ्यांची भाशणां म्हाका पाठ आसात.

मोगा : म्हाका दांडलावयलें सवंग खूब आवडटा.

देमू : म्हाकाय आवडटा.

मोगा : म्हाका दांडलावयलो थोंटी आवडटा.

देमू : म्हाकाय आवडटा.

मोगा : म्हाका थोंटीचें संवंग नाचपी बाबुराय आवडटा.

देमू : म्हाकाय आवडटा.

मोगा : हांव बाबुरायाकडेन लगीन जावपी.

देमू : हांवूय बाबुरायाकडेन-

मोगा : हय. हांयें तसो मांडार सोपूत घेतला.

देमू : बाबुरायाकडेन लगीन जातलें? म्हाजेकडेन जावचें ना? राव, आतांच दाखयतां तुकां. (उलो मारून) येशाऽऽ एऽऽ येशा, बेगीन यो. (येसो धांवत येता. हातांत सिगार आसा.) हें मोगा म्हाजेकडेन लगीन जायना खंय.

येसो : अब्बा! कशें लगीन जायना तें पळयतां. पयलो दितां तुकां सिगाराचो दाग.

मोगा : आवयस!
(काळोख. दिसा-सपन सोंपता मोगा आपले भितरुच 'आवयस' 'आवयस' म्हणून आंग काडटा. इतल्यान मोगाची बा ताका सोदीत कुळागरांत येता.)

बा : मोगाऽऽ मोगा हांगा कितें करता? दिसाचेंच सपनेता मुगो तूं. चल. घरा चल.

(ताका घेवन घरा वता. पंगड गायता.)

मोग रुजना बळीयां, मोग गळटा दोळीयां
मोग तोडीत्या बापानो, ही कसली माया सांगा होऽऽ

(काळोख)

देखाव : बारा

(घर. दादी सोप्यार बसून शेनतांच्यो विडयो बांदता. म्हऱ्यांत फोलीण आसा. बा भायर येता. दादी कितेंतरी सांगपाक सोदता.)

बा : कितें करता?

दादी : दिसना? विडयो वयटां.

बा : म्हाकाय चार पत्रावळी तोंपपाच्यो आसल्यो.

दादी : मागीर तोंप. हांव कितें पानांचे देठे मोडूं काय येळाचीं शिगरां काडूं?

बा : लक्ष लागना.

दादी : लक्ष ना लागपाक तुजें कितें चाळवलां तर?

बा : हालीं मोगाचेर तुयें नदर माल्ल्या?

दादी : माल्ल्या म्हणजे?

बा : पोर सुकून कशें चार्वट जालां पळय.

दादी : भोंवता दंपारचे-तिंपारचे वोताबिताक.

बा : भायल्या वोतान न्हू. पोर भितल्ल्यान दुखावलां.

दादी : तूं वैज केन्नासावन जाली?

ब्रा : हांव आवय. तितलें कयटा म्हाका.

दादी : कयटा जाल्यार सांग.

ब्रा : तुमची देमूची सोयरीक तेका पसंत ना.

दादी : पसंत ना म्हणजे? भुरगो दोनूय हातीनी काम करता. बरी जोड आसा. आनीक कितें जाय?

बा : सगळें खरें पूण मोगाक मानोवंक नाका?

दादी : तेणे मोगाक पसंत केलां. हांगा मोगाचे पसंतीचो प्रश्न खंय येता?

बा : कसो येयना?

दादी : तुज्या आनी म्हाज्या लग्नावेळार येयल्लो?

बा : तें आनी हें एक न्हू. तेन्ना मनशांत आनी गोरवांत व्हडलो फरक नासलो. आतां काळ बदल्ला.

दादी : म्हणटकूच मोगाक देमू मानोवंक ना म्हणटा?

बा : तें मोगाकूच कित्याक विचारीना?

दादी : (उलो मारून) मोगाऽऽ (मोगा येवन उबें रावता) बाय, तुकां देमूची सोयरीक नाका?

बा : सांग बाय, सांग.

(मोगा वग्गी)

तें कितें सांगतलें? तेच्या तोंडावयल्यान कळना?

दादी : म्हाका दिसता, तेच्यापरस तुकांच देमूची सोयरीक नाका.

मोगा : (अकस्मात) ना दादी, म्हाकाय नाका.

दादी : पळय बाय, लगीन काय कोणाक चुकना. आयज ना फाल्यां तुकां लगीन जावपाकूच जाय.

मोगा : जातलें, हांव लगीन जातलें दादी, पूण -

दादी : (समजून) देमूक हांव सांगोन धाडटां.

(बा मोगाक बाबुरायाचो विशय काडपाक सुचयता.)

मोगा : आनी दादी, म्हाका दांडलावयलें संवंग खूब आवडटा.

दादी : तीं संवंगां आतां बद्द फुडल्या वर्सा.

मोगा : संवंग न्हू दादी. म्हाका बाबुराय आवडटा. म्हाका तेचेकडेन लगीन कर.

दादी : बाबुराय? म्हणजे आमच्या कुळागराचे वांटणे कुशीक वांटणी आसा तो बाबनीलो बाबुराय? बाबनी म्हणजे एका काळावयलो आमचो दुस्मान.

बा : तो मेलो. मर्णाबरोबर दुस्मानकाय सोंपता. भुरगो बरो आसा.

दादी : कितें बरो आसा? वर्सांतल्यान एक रात मूद घालून जागराक नाचलो म्हण पोटां भरतात?

बा : म्हणजे हात–पांय ना तर तेका?

दादी : ना कित्याक? आसा. पूण ते सारके हालोवपाक नाका? आमी कुळागरी मनशां. आमची कामां हाती–पायांचीं आनी कश्टांची. हो बाबुराय कामाक फाटीं. माथ्यार वजें घेतलेलो हेका कोणे पळोंवक ना. फाटकुळेर साक मारपाक नाका. कुदळ घेवन केळिच्या मुळांत आळें खणटना हेच्या कमरांत येता. केन्ना सावळीक वचोन जाणा? केन्ना खंय भरीक वचोंन जाणा?

बा : शिकतलो तो, ल्हान आसा आजून.

मोगा : हय दादी, शिकतलो.

दादी : केन्ना शिकतलो? लगीन जावन भुरगींबाळां जातकूच? आनी सुपारी पाडटाना एके माडयेवयल्यान दुसरे माडयेर झेल घेवंक जायत तेच्यान? कुळागरी मनशाचें सगळ्यांत व्हडलें कसब तें हें – आंगार मूद चडोवन पांयांक दांडलां बांदुन नाचपाइतलें तें सोपे न्हू. समजलें?

मोगा : जमतलें, तेंवूय तेका जमतलें दादी.

दादी : जमतलें?

मोगा : हय, जमतलें.

दादी : तशें जाल्यार जमता तेन्ना पळोंवया.
(देमूली आयिद्दांची पोती उखलता.)

देमू आपणाली मेस्तपणाचीं आयिद्दां हांगाच दवरुन गेल्लो. पावयतां व्हरोन. दोन कल्लीं करपाक सांगलेली तेका. आतां कांय नाका. वगीच गरज नासतना तेचो जीव हांगासर खुंट्याक कित्याक बांदून घालूं?

ा : तूं कित्याक व्हरोन पायता? दी धाडून कोणायकडेन.

ोगा : दादी, तेचें सगळें सामान पावय आनी तेका सांग, सपनांतबी येवं नाका म्हणोन.

ादी : बरें आसा.

ोगा : (लाडान येवन) दादी, तूं कितलो म्हणोन बरो रे! भायल्यान दिसता कांटयारो पूण भितर रोसाळ घरो.

ादी : पुरो, पुरो. वगीच म्हाका म्हसंगा झाडार चडोंव नाका. हांव कितलो बरो तें म्हाका खबर आसा.

ोगा : कितलो बरो?

ादी : बऱ्याक बरो, तितलो वायटाक वायट. समजलें!
(पंगड गायता)

मोग उडटा मळबां,
मोग फोडीता तळपां
मोग करीत्या मोगीनो,
हो कसलो खेळ सांगा होऽऽ

(काळोख)

देखाव : तेरा

(कुळागर. उशेणाची सुवात. बाबुराय उशेणांतल्या उदकांत शेंकरे मोखता. फाटसून मोगा धांवत येता.)

मोगा : बाबुरायऽऽ

बाबुराय : मोगाऽऽ

मोगा : हांगा कितें करता बाबुराय?

बाबुराय : तुजी वाट पळयतां मोगा.

मोगा : सदांच हांगा येतालो?

बाबुराय : हय सद्दां. हालीं तूं नाच. सकाळीं शिंपण्याकूय येयना. त्या दिसा हांगासर मेळलेली तितलींच. मोगा, तुजें कितें घडलां?

मोगा : घडलेलें खरें पूण आतां ना.

बाबुराय : म्हणजे?

मोगा : आतां म्हाका देमूची सोयरीक ना. तो म्हाजो घोव जावचोना.

बाबुराय : म्हणजे तेणे तुकां मागणी घातलेली?

मोगा : हय.किडयाळ्या दांतांचो. म्हाका तो साप आवडना. हांयें बाक आनी दादीक सांगून सोडलें.

बाबुराय : कितें?

मोगा : म्हाका देमू निखालस आवडना. त्या वाट्याचो –

बाबुराय : त्या वाट्याचो? त्या वाट्याचो कोण आवडटा?

मोगा : बाबुराय! तूं.

बाबुराय : हांव.

मोगा : हय, तूं! तुकां केन्ना काय सांगन जाल्लें. बाबुराय, म्हाजें कितें चुकलें रे? बाक आनी दादीक सांगचे पयलीं तुकां इचारपाक जाय आसलें न्हू?

बाबुराय : ना मोगा. म्हाजेंच चुकलें. हांयेंच तुकां आदीं सांगपाचें.

मोगा : कितें तें?

बाबुराय : हांव तुजो प्रेम करतां तें.

मोगा : खरेंच तूं म्हाजो प्रेम करता?

बाबुराय : हय.

मोगा : कितलो?

बाबुराय : कितलो? ह्या ह्या उशेणांत सांठवल्या उदका इतलो.
(मोगा उशेणाच्या तुमाकडेन उडी मारता.)

बाबुराय : मोगा, कितें करता?

मोगा : उशेणाचो गुड्डो सोडटां. उदकाक वाट मेकळी करून दितां. पळय, उशेणांतले उदक कशें फसफसता. फेणेर पळय. चमेलीचीं धवीं फुलां! बाबुराय, आमचो मोग धवोफुल्ल!

बाबुराय : थंय पळय, तळपाकडलो शंकर रसररता. रंग पळय. तांबड्यो तांबड्यो जिबो! मोगा, आमचे मोग तांबडोगुंज!
(मुक्तक)

मोगा : बाबुराय,
आमचो मोग तन्नी कंवळी केळ.
केळीच्या आंगांत पाणीच पाणी,
तुजी म्हजी प्रेमाची काणी!

बाबुराय : *मोगा,*
आमचो मोग उंच उबार पाचवी माडी.
माडयेच्या गळ्यांत बेड्यांचे गांठलें,
तुजें म्हजें सपन फिटलें.

मोगा : बाबुराय,

तूं म्हजो राजा!

बाबुराय : *मोगा,*

तूं म्हजी राणी!

(मोगा अकस्मात गंभीर जाता)

कितें जालें मोगा? अकसमात तुजी नुरा कित्याक बदलूली?

मोगा : बाबुराय, दादी कितें म्हणटा जाणा?

बाबुराय : खबर आसा म्हाका. फकत एकलो तुजो दादीच न्हू, गांवातले सगळे लोक तेंच उलयतात. म्हाका कुळागरांतले काम जमना म्हणोन उणाक लेखून हिणसायतात. म्हाजी तोखणाय जागरांतले एके रातीपुरती. तुकांय तशेंच दिसता न्हू मोगा?

मोगा : ना बाबुराय, आमचो मोग जावन व्हांवपी ह्या उदकाचो सोपूत म्हाजेखातीर आख्खें वर्स म्हटल्यार ती एक रात. पूण-

बाबुराय : हांव, हांव सगळी कामां करतलों. कुदळ घेवन खण्णी मारतलों. भर खणटलों, सांवळीक वयतलों. माथ्यार वजें घेवन बाजाराक वयतलों. कुळागरी मनशाची सगळीं कामां करतलों. अशें तितूंत मोटें कठीण कितें?

मोगा : एके माडयेवयल्यान दूसरे माडयेर झोपय घेयशी?

बाबुराय : हय, हय. तेंवूय करतलों.

(बाबुराय माडयेर धेंप मारता)

मोगा : (ताका पळयत) बाबुराय, हें कितें करता? माडयेर कित्याक चडटा? कितल्या नेटान धेंपां मारता? बाबुराय, पुरो. आनी वयर वचूं नाका. माडयेच्या कवाळ्याकडेन पावलो पळय. बाबुराय, माडी झेलोवं नाका. तुका संवय ना. बाबुराय म्हाजें काळीज धडधडटा. बाबुराय, एके माडयेवयल्यान दुसरे माडयेर झोपय घेवूं नाका. पडशी रे म्हाज्या राजा. (भंयान दोळ्यांचेर हात दवरून) आवयस्! पाव रे म्हाज्या मांडावयल्या देवा.

(बाबुराय एके वटेंतल्यान गेल्लो तो दुसरे वटेंतल्यान येता)

बाबुराय : (येत) मोगा, हांव येयलों. एके माडयेवयल्यान दुसरे माडयेर

उडी मारून हांव येयलों. आतां सगळे म्हणटले, माडयेर चडपाक पयली चानी आनी दुसरो बाबुराय.

मोगा : (हुंडकेत) बाबुराय म्हजो बाबुराय!

(काळोख)

देखाव : चवदा

(घर. बा पडवेर बसून दोणे तोंपता. इतल्यान भायरसून मोगा येता)

मोगा : जाणां बा! काल मजाच जाली.

बा : कसली मजा?

मोगा : काल अंतू भाटकारागेर मळणी जाली.

बा : मागीर कसली मजा? मळणेंक कितें सगळें पोलूच जालें?

मोगा : पंचवीस साक भात. आवयस!

बा : अजाप कसलें? हेचेआर्दी तेगेर पन्नास साकपासून पिकलां.

मोगा : इतले साक फाटकुळयेर मारुन खळावयल्यान घरांत व्हरोन दाळपाचे. खळें खंय? एका उल्याचेर.

बा : मानायांचे काम तें.

मोगा : धा मानाय आशिल्ले खंय!

बा : आसपाचेच.

मोगा : सांज जातासर एक एकल्यान कूस माल्ली. उल्ले फकत दोग जाण. तितूंत एक बाबुराय.

बा : (समजून) अशें.

मोगा : पंचविसांतले वीस साक एका बाबुरायान दाळ्ळे खंय.

बा : अशें जालें तर !

मोगा : काम करता तें कोणाक दिसना. काम करिना ते मात ज्यू
दिसता. उलोवपाक सगळे जाणां.

बा : आतां कोण उलोवचोना.

मोगा : कितें उलोवचोना?

बा : तुकां लागता, खुपता तसलें कोण उलोवचोना. समजलें?
(इतल्यान दादी भायरसून येता)

मोगा : दादी, तुकां फाल्यां खण्णेक आपोवंक ना?

दादी : खण्णेक? कोणागेर? (याद जावन) हय हय. दुग्यागेर मुगो?
सांगतालो म्हाका. आतां पेलना अशें न्हू, पूण –

मोगा : जेंका पेलता ते सगळे वयतले.

दादी : वचों गो. तेणीं वयपाचेंच.

मोगा : कोण कोण वचपी जाणा?

दादी : (समजून) बाकिच्यांचें सोडून घाल. बाबुराय वयतलो मुगो?

मोगा : हं. म्हाका खबर ना.
(पयस कुळागरांत पळयत)

मोगा : माकोड. कुळागरांत माकोड येयला. हूपऽऽ हूपऽऽ (मोगा
कुळागरांत धांव मारता.)

(काळोख.)

देखाव : पंदरा

(कुळागर. मोगा धांवत कुळागरांत येता. हेवटेन तेवटेन
लोकांचो अदमास घेवन)

मोगा : माकडा हूपऽऽ माकडा हूपऽऽ
(दोगी बायलो तेवटेंतल्यान वतात)

पयली : मोगा, कसलो बोवाळ गो?

दुसरी : कोण येयला कुळागरांत?

मोगा : माकोड. माकोड.

पयली : माकडाखातीर इतलो बोवाळ कित्याक?

मोगा : घडावर्ली खातलो.

दुसरी : मागीर आमूड.

मोगा : म्हाका बाये भंय दिसता.

पयली : भंय दिसपाक ते कितें वाग? माकडां-वानरांक केन्नाच्यान भिवपाक लागलें तूं?

मोगा : तशें हांव खरेल्या माकडांक भियेना गे.

दुसरी : खरेल्या म्हणजे?

मोगा : (सांवरीत) पळय, कसो एके माडयेवयल्यान दुसरे माडयेर झोपय घेता.

पयली : (नियाळीत) आगे बाये, हो सादो माकोड न्हू.

दुसरी : मागीर?

पयली : शेंपडी नासलेलो माकोड!

दुसरी : मोगा, हो तर बाबुराय.

मोगा : म्हाका कितें सांगता? सांगात म्हाज्या बाक आनी दादीक.

दोगीय : म्हणजे गो बाये कितें?

(दोगीय एकमेकींक पळोवन हांसतात)

दोगीय : सांगता, सांगता तुज्या बाक आनी दादीक.

(दोगीय ताचीं फकाणां करीत वतात. मोगा बाबुराय माडयेवयल्यान सकयल देंवपाची वाट पळयत रावता. कांय वेळान बाबुराय कासावीस जावन येता.)

मोगा : बाबुराय, हांव सांगतां तें तूं आयकुचोना?

बाबुराय : कितें?

मोगा : तूं एके माडयेवयल्यान दुसरे माडयेर झेल घेता तें बंद कर.

बाबुराय : कित्याक?

मोगा : तुकां आतां सगळ्यांनी पळयला. तूं माडयेर खेळटा तें पळयला. शेताभाटांत वावुरता तें पळयला.

बाबुराय : हांव हें दुसऱ्यांखातीर थोडेंच करतां. पयलीं म्हाका दिसतालें खरें. दुसऱ्यानी नांवां दवरची न्हू म्हणोन हांयें हो वावर करप. पूण आतां ना. आतां म्हाकाच दिसता. मनापासून दिसता.

मोगा : बाबुराय, तूं बदल्ला. म्हाका भिरांत दिसता.

बाबुराय : कसली भिरांत?

मोगा : तूं हीं सगळीं कामां करशी आनी जागरांत नाचपाचें विसरशी.

बाबुराय : ना मोगा, विसरचोना. आनी जागरांत नाचपी हांव एकलोच ना. बाकिचेय आसात. तेवूय आपआपलीं कामां करतात. आनी जाणा मोगा?

मोगा : कितें?

बाबुराय : हांव आतां म्हाज्या पायांर उबो रावतलों.

मोगा : म्हणजे?

बाबुराय : हांव जोडटा. दिसावड्याचे सगळे दुडू हांयें एकठांय केल्यात. तेंचो हांव तुकां मणी करतलों. भांगराचो मणी!

मोगा : म्हणजे आमी आतां रोकडेंच लगीन जावपाचें?

बाबुराय : थार धर मोगा. पयलीं तुकां मागणी घालपाक जाय.

मोगा : मागणी?

बाबुराय : हय. देमून तुगेर येवन तुकां मागणी घातली ना? तशी मागणी हांयें खंय घातल्या?

मोगा : तूं केन्ना येतलो मागणी घालपाक?

बाबुराय : फाल्यां.

मोगा : कसो येतलो? घोड्यार बसोन येयशी?

बाबुराय : ना. वाऱ्यार बसोन येतलों.

मोगा : म्हणजे?

बाबुराय : आमच्या कुळागरांतले माडयेर चडटलों आनी दर्या हुपचो तशी एक एक माडी हुपतलों. तुमच्या कुळागरांतल्या माडयांवयल्यान येतलों आनी अचळय तुमच्या आंगणांत देंवतलो. हात मुखार करून तुज्या दादीक म्हणटलों, (मुक्तक)

दी, तुजे धुवेचो हात म्हाज्या हातीन दी.
मोग केला तेचो, शंबर शंबर वर्सां
मोग केला तेचो, दोनशीं फुलांचीं पोर्सां
धल्लेलो हात सोडचो ना
घडलेलो गाडो मोडचो ना
सोपूत आमच्या मोगाचो
जागराच्या धाग्याचो
दी, तुजे धुवेचो हात, म्हाज्या हातीन दी.
तुजी वंशवेल दुदीन कशी फळयतां
तुजे धुवेपासत रक्त - घाम व्हळयतां
तुज्या रिणांत म्हाका आयुश्यभर रांवदी
दीस आनी रात तुजे गूण गांवदी
दी, तुजे धुवेचो हात म्हाज्या हातीन दी.

मोगा : सुंदर! म्हाज्या मनचो राजकुंवर म्हाका असोच येयलो जाय. बाबुराय, दोळ्यांत प्राण गुथून हांव तुजी वाट पळयतां. (उमेदीन उडयो मारीत वता. बाबुराय दुसरेवटेन वता. काळोख)

देखाव : सोळा

(रोकडोच उजवाड जाता. वाजोवपी पंगड गायता. कुळागरांत लोक हांगा-थंय वावुरतात. कोण पानां खुट्टा, कोण पोवल्यो एकठांय करता. कोण बेडे पुंजायता जाल्यार कोण कुळागरांतल्यान हेवटेन तेवटेन वतात. अदींमदीं सगळ्यांचे लक्ष वयर माडयांचेर नाचपी बाबुरायाचेर वता. सगळे कवतुकान ताचेकडेन पळयतात. पंगड गायता.)

कुळागराचो कुंवर,
जालो वाऱ्याचेर सुंवार

हुपून काडलें तळप,
तेणे मापून काडलें मळब
उडलो रे उडलो असो हणमंत
जालो रे जालो असो यशवंत

(अकस्मात घोऽ करून बाबुराय पडटा. तेसरशीं वाजप अकस्मात थारता. सगळेजाण बाबुराया म्हऱ्यान धांवत येतात. लोक बाबुराया भोंवतणी कंवडाळें करतात. ताका सावचीत करतात. वाजप-गावप परत सुरू जाता.

पडलो रे पडलो तारो मळबांतुल्यानु
झडलो रे झडलो तोरो देंठांतुल्यानु

हाय रे हाय आनी मळबाक जालो घाय
अर्दे वाटेर अडून उल्लो पिरथुमेचो राय

(काळोख)

देखाव : सतरा

(घर. दादी आनी बा पडवेर बसून कामां करतात. दादी विडयो बांदता जाल्यार बा पत्रावळी तोंपता)

दादी : तरी बाबुराय बऱ्यान वाटावलो.

बा : हय तर. देवानूच वाटायलो म्हणपाचो. इतल्या वयरसान पडप म्हणजे?

दादी : कुळागरांत इतले उंचायेवयल्या पडलेलो कोणूच आजून जितो उरुंक ना. माडये वयल्यान केळीचेर पडलो म्हणोन सुटलो.

बा : देवानूच रुजयिल्ली आसतली ती केळ. गरजेभायर आमचेर अपसरण येवपाचें.

दादी : आमचेर कित्याक?

बा : पडचो पडोन आमच्या कुळागरांत पडलो न्हू?

दादी : हय. खरें म्हटल्यार आमचे वांटणेंत येवपाची गरजूच नासली. तुजी वांटणी आसा न्हू. थंय कर तुजे खेळ आनी कसरती. आमच्या कुळागरांत कित्याक?

बा : आमी आस दाखयल्या न्हू?

दादी : (आवाज चडोवन) कसली आस?

बा : आनीक कसली?

दादी : कोणे कसली आस दाखोवंक ना. हेवटेंतल्यान उतर वचोंना, तेवटेतल्यान उतर येवंक ना. वगीच मुयेचो दोंगर करपाची गरज ना.

बा : पांय कापचो पडलो म्हणटा ती गजाल खरी?

दादी : हय. धोंपरामेरेन वडोवचो पडलो.

बा : दावो काय उजवो?

दादी : दावो आनी उजवो. पांय गेलो हें खरें.

बा : तरी जीव वाटावलो तो खूब जालो. जीव आसल्यार भीक मागून खांव येता.

दादी : ती गजाल भिकाऱ्यांची. कुळागरी मनशांक पांगळो जावन उपकारना. हातपांय हीच तेची धनदौलत. आदींपासून म्हाका त्या पोराची लक्षणां धडाचीं लागनासलीं.

बा : आमी बऱ्यान सुटलीं.

दादी : अखेर देवाच्या मनांत आसता तेंच घडटलें. वगीच हो मनीस मानवना आनी हो मनीस मानवता म्हणोन उपेग कितें? आमच्या मनशाच्या हातीन थोडेंच आसा. वगीच म्हणटात? लग्नाच्यो गांठी वयर बांदतात.

बा : आतां आनी जागोर.

दादी : वर्साचो जागोर जावन वयतलो. खंय कितें खट्‌-खूट्‌ जालें म्हणोन वर्सावळीच्या कार्याक बादा येयना. मोगा खंय?

बा : आसा भितर. तें आनी आयकत.

दादी : तेणे आयकुचें म्हणोन तर येद्र्या व्हडल्यान उलयतां. आनी जांव अस्वडी, जांव मुखार उलोवपाक हांव भियेनां. तें म्हागेर जालां. हांव तेगेर जावंना. समजलें?

बा : तितलें समजता तेका.

दादी : आनी तुजे धुवेक आतांच शिटकावन दवर.

बा : कितें?

दादी : आतां हत्तपार त्या बाबुरायाक मेळटलें न्हू.

बा : लागीं लागीं कुळागरां. शिंपण्याक वयता थंय मेळप जाता. मुद्दाम कोण मेळना.

दादी : शिंपण्याक वयपाची गरज ना. तेणे कुळागरांत पांय दिना जाल्यार जाता. तेंच्या शिंपण्याबगर कुळागर बावून वयपाचें ना.

बा : कुळागर कित्याक? तेंच बावतलें.

दादी : आतां जंय उतर पडटा थंय उजोवन काडपाचें.

बा : इतलें जड जालां?

दादी : जड न्हू, चड जाला. फाल्यां सगळो गांव भरलो जाल्यार कोण पडवेर पांय दवरचोना.

बा : इतले येताचें वांव आनी वांवाचो गांव करपा, इतलें कांय घडोना.

दादी : हांव तरी घडलां खंय म्हणटां? घडोंक जायना म्हणोन शिटकायतां.

बा : एक नातर दुसरी. म्हाजे धुवेक सोयरीको येतल्यो खोंटल्यांनी.

दादी : येवंदी. ह्या जागरा पयलीं उजोवन काडूंया.

बा : जागरा पयलीं कित्याक?

दादी : (रागान गाळ मारुन) तुज्या मांयच्या मिंदयाक.

(बा आंगणांतलो कोयर भायर वडोवपाक आनी भायरसून देमू आनी येसो येता. बा कोयर दुसरेवटेन वडयता आनी तांका पळोवन भितर वता. देमू पान खाता जाल्यार येसो सिगार ओडटा. दादी उठून तांका येवकार दिता. बसपाक कांबळ हातुरता.)

दादी : येयात, येयात.

येसो : कितें दादी? कसो आसा? वळखुना?

दादी : वळखुना कित्याक? बरो वळखलों. देमू आनी येसो.

येसो : बरोबर.

दादी : तशी वळख खंय वयता?

येसो : बरोबर.

(मुखार उलोवपाक गडबडटा. विशय कसो सुरू करचो तें कळना.)

येसो : (अकस्मात) दादी, आयकलां तें खरें?

दादी : (कांचवेता) कितें?

येसो : तुमच्या जागरांतलो दांडलावयलो थोंटी खऱ्यांनीच थोंटो जालो खंय?

(दादी शादूर रावन जापो दिता.)

दादी : हय. पोर माडये वयल्यान पडलो.

येसो : कुळागरी पोर माडये वयल्यान पडप म्हणजे अजापूच. फाल्यां तारयालो पोर बुडोन मेलो म्हटल्यार कोणांक खरें दिसत? तुमचो शेजारी दिसता?

दादी : शेजारी म्हणजे तसो दुस्मानाचो पोर.

येसो : तुमच्याच कुळागरांत पडलो खंय?

दादी : आमच्या म्हणजे, दोगांयच्यो वांटण्यो लागीं लागीं. मदीं एका चराची शीम. चडलेलो आपले माडयेर पडलो आमचे वांटणेंत.

येसो : कसली लुकसाणी जाली ना न्हू?

दादी : लुकसाणी म्हणजे पांय गेलो.

येसो : तेची न्हू. तुमची.

दादी : आमची? आमची कित्याक लुकसाणी जातली? एक केळ मात मोडली.

येसो : तेंच, तेंच म्हणटा हांव. केळ मोडली ही लेगीत लुकसाणीच जाली ना?

दादी : कितें करतलो! मोडली खरी. वडयली कापून.

येसो : म्हणजे तेवटेन पांय कापलो, हेवटेन केळ.

दादी : तशेंच जालें.

येसो : अंदू जागराक नखलामी घडली तर!

दादी : नखलामी कसली? वर्साचो जागोर जावन वयतलो. तेंच्यान नाचपाक जायना जाल्यार तेचे घरवडींतलो दुसरो कोणूय तेगेलें सवंग नाचतलो.

येसो : नांव कितें म्हटलें?

दादी : दांडलावयलें सवंग.

येसो : तेचे नांव, नाचप्याचें?

दादी : नाचप्याचें? (बळयां) तोंडाकडेन आशिल्लें पळय. कितें आसा – तेंचो आनचो कसलो संबंदूच ना. म्हणटकूच –

येसो : आसूं, आसूं. सबंद ना तोच बरो. न्हू रे देमू?
(देमू व्हदळसावन वगीच आसा.)

दादी : आरे, हो देमू वगी कित्याक? उलय मरे.

देमू : उलोवन उपेग कितें?

दादी : म्हणजे?

देमू : दादी, तुवें मेस्तपणाची आयिद्‌दां परतीं धाडलीं, तीं बरेभाशेन पावलीं.

दादी : हांवूच घेवन येवपाचों पूण जमलें ना. देखून धाडून दिल्लीं. हांगा म्हटलें वगीच कित्याक दवर? कलम–बिलम येयली जाल्यार?

देमू : म्हाजें दोन कल्ल्यांचे गिरायक वगडायलें.

दादी : गिरायक आसाच. दी दोन कल्लीं करून.

देमू : कल्ल्यांचें बरें आसा. कुळागर सारकें आसल्यार कल्लीं कितलींय करूं येत.

येसो : दादी, ह्या देमूचें कितें घडलां जाणां? जीण्यावयली वान्साच गेल्या. पटाक संवकला. काल सोऱ्याचे गादयेर वयतालो, हांये आडयलो.

देमू : मन विसरायेर घालपाक कितें कितें करचें पडटा.

दादी : शी! तुज्यासारक्या दाणग्या–दुणग्या भुरग्यान अशें करप सारकें न्हू. आनी तूं संवसारी भुरगो.

येसो : हांय कितलें सांगलें पूण–दादी हेचेखातीर हांयें थोडें केलेंना. कितलीं चेडवां पळयलीं. हेका एकूय पसंत ना. आतां म्हाका सांग, सगळींच चेडवां मोगासारकीं कशीं आसतलीं? दादी, लजभीड सोडून म्हणटा तशी अडलेल्या पाणयांक परत वाट करून दिवं?

(दादी तकली हालोवन हयकार दिता.)

आमचें उतर तुमी एकदां भायर वडयलें.

दादी : हें पळय, उतर भायर वडोवना. आमचेवटेन थोडी अडचण जाली.

देमू : मोगाच्या मनांत नाशिल्लें दिसता.

दादी : ना, ना अशें कांय ना. पोरूं वर्सां आमकां कार्य झेपचें नासलें.

येसो : अंदू वर्सा?

दादी : अंदू वर्सा पोराक कशेंय करून सव्यार चडोवपाकूच जाय.

देमू : तशें जाल्यार आमचें पोरुंचें उतर अंदू चलोंदी.

दादी : कित्याक चलचेंना? खणखणीत बंदो रुपया कशें चलतलें. (उलो मारून) मोगाचे बाऽऽ

(बा भायर येता) तुवें आयकलां आसतलें आमचे उलोवणें. सगळें आयकोना जाल्यार निदान अदमास तरी बांदला आसतलो. आतां आनीक कसली अडचण उबी रावंक दिवप ना. चल, मोगाक भायर आपय.

बा : भायर आपोवपाक घरांत आसा तर तें?

दादी : खंय गेलें?

बा : आनींक खंय?

दादी : (दोगांकूय) हांव तेंका पळोवन येतां. तुमी बसात. (बाक) तेंका च्याव कर. (दादी हातांत दांडो घेवन कुळागरांत वता.)

(काळोख.)

देखाव : अठरा

(कुळागर. उशेणाचे धडेर बाबुराय फाट करून बसला. ताचे पांय दिसना. तो उशेणांतल्या उदकांत शेंकरे मोखता. कांय वेळान मोगा कुळागरांत येता. 'प्रेमजागोर' आख्यानाची धून वाजता. मोगाच्या मनाची अवतिकाय सैरभैर जाल्या. जड पावलांनी तें येता. तसोच चर हुपता. बाबुराया म्हऱ्यांत वचपाक सोदता. एक एक पावल उबारता. इतल्यान पयसुल्यान दादीचो धेकणो आयकूंक येता– "मोगाऽऽ". तेसरशीं बाबुराय मान वळोवन फाटल्यान पळयता. मोगा तशींच पावलां फाटीं घेता आनी एका दमान धावूंक लागता. चर हुपता आनी आयिल्लें तेवटेन वता.

(काळोख.)

देखाव : इकुणीस

(घर. घरांत लोक बोवाळटात. दादले आनी बायलां. ते नवीं न्हेसणां न्हेसल्यात. लग्नाचो बोवाळ. भितर बायलां खंयतरी लग्नांतल्यो ओंवयो म्हणटात.)

आईबापाचे पोटी,
जलमली गे बेटी
घनाची गे पेटी,
बाळ मोगा आमचें

तळ्यांतलें साळीक,
सोडा गा उदीक
परघरा वयता लेक,
काय राज्य करूंक

काळजाचें कुरकुट,
तितुंतली भिरमूट
पोटीच्या रत्नाचें,
हें कन्यादान

रामान खुंटल्यो कळयो,
लक्ष्मणान भरल्यो झोळयो
सीते गे गांथ माळा,
जालो लगीन वेळ

(काळोख)

देखाव : वीस

(कुळागर. बाबुराय एका माडयेच्या आदारान उबो रावला. मोगाल्या घरावटेन पळयत आसा. तेवटेन येवपी होंवयांचो आवाज स्पश्ट आयकूंक येता.)

(काळोख)

देखाव : एकवीस

(घर. लग्नांतलें वाजोवप आयकूंक येता. लोक बोवाळटात. घरभरवणी भायर सरल्या. मुखार देमू आनी मोगा, न्हवरो-व्हंकलेच्या भेंसात. तांका येशान सत्री धरल्या. बाकीचे लोक फाटल्यान वतात. दादी आनी बाचे दोळे ओले जाल्यात. तीं दुकां पुसतात.)

(काळोख)

देखाव : बावीस

(मांड. मांडाचेर जागोर सुरू जाला. सगळें वर्सा सारकें. एक सवंग माथ्यार तुरमुटी दवरुन नाचता. जागराचें नमन गायता. एक एकलो मांडार येता. पंगड गायता.)

नमन म्हाजेंऽऽ मांडाच्या गुरू
ममन म्हाजेंऽऽ सांतेरी माये
नमन म्हाजेंऽऽ रौदिऱ्या देवा
नमन म्हाजेंऽऽ गांवपुरसा देवा

नमन म्हाजेंऽऽ सर्वय देवांक
नमन म्हाजेंऽऽ बसलेले सभेक

(काळोख)

देखाव : तेवीस

(घर. मांडावयलें वाजप आनी गावप आयकूंक येता. दादी जागराक वचपाक भायर सरला. लापयांवाची वात सारकी करता. बायलेक उलो मारता.)

दादी : तुजें आजून भायर सरोन जायना? तेवटेन मांडार दिवली पेटली.

बा : (भायर सरत) तुमचें दादल्यांचे भायर सरप आनी बायलांचे भायर सरप एक न्हू.

दादी : खबर आसा. मनांत आसल्यार सगळें वेळावेळ जाता. थंय जागरांतलीं सवंगां आमचेखातीर रावचीना.

बा : मनांत नाशिल्लें म्हणटा तें खरें. पूण तुजे बळजबरी मुखार कोणाचें कितें चल्लां? तुज्या मनांत येयल्यार जित्या मनशाक उब्यांनी पुरशीत तूं.

दादी : तुकां खोरजता एकीकडेन आनी तूं बुड्डीता दुसरेकडेन. मांडार जागोर चलला आसताना घरांत कोण न्हिदोन रावना. मांडाच्या गुरूचें रागणें पडटलें तेन्ना मागीर कयटलें.

बा : आतां पडलां तें थोडें!

दादी : कोणाचें कसलें रागणें पडला?

बा : पोराक लगीन करून आयज –

दादी : पोराक लगीन करुन म्हयने जाले काय वर्सां जालीं? आयज मेजून धावो दीस.

बा : जीवाक कसलो घोर लागला.

दादी : घोर लावन घेवपाची कसली गरज ना. तें थंय नंदपाक लागलां आसतलें.

बा : खबर तरी घेवन येवपाची.

दादी : आयचो जागोर जावंदी. फाल्यां पळयतां.

बा : नव्या होंवराक जागराक आपोवपाचें.

दादी : म्हाका उमेद नासली? पूण सात-पांच येवजून मारतें घेतलें. फुडल्या जागराक आपोवचीं. दोगांची तिगांय जावन येत. समजलें? चल बेगीन. त्यो माटवांतल्यो चाली नाका.

(वचपाक भायर सरता. हातांत दांडो आनी लापयांव घेता. इतल्यान भायरसावन मोगा येता. तें कापड न्हेसलां. पोलको घातला. गळ्यांत मणी आसा. आंगांर थोडेभोव अळंकार आसात. ताका पळोवन आवयबापूय काचाबूल जाता. मोगा सभावान निबर जालां.)

बा : बाय, मोगा म्हजे धुवे? कशें आसा? अशें अकस्मात? रातीचें?

दादी : (पळोवन) एकटें येयलां?

मोगा : हय. एकटेंच. जागराक येयलां. जागराक येवपाक कोणाची मनाय ना न्हू?

बा : मनाय कित्याक आसतली? खरें म्हटल्यार तुमकां जागराक आपोवणें धाडपाचें मनांत आसलें पूण -

मोगा : पूण कितें जालें? हांव आदलें भोळें उरूंक ना. तुमी म्हाका जागराक आपोवचीना हें म्हाका खबर आसलें. देखून हांव येयलें.

बा : बरें दिसलें.

मोगा : बरें दिसलां फकत तुकां, दादीक न्हू.

बा : अशें कशें बाय? तुज्या दादीकूय बरें दिसलां. (दादीक) सांग न्हू तेका.

दादी : तूं अशें रातीकातीचें एकोडें येयलां तें म्हाका बरें दिसोना.

मोगा : हांव म्हाज्या जागराक येयलां.

बा : जागोर तुजोच.

मोगा : ना. सगळो जागोर न्हू. जागरांतलें एकूच सवंग म्हाजें. दांडलावयलें सवंग, थोटीचें, जें बाबुराय नाचता तें. हांव बाबुरायाखातीर येयलां.

दादी : बाबुराय पडला दोको मोडोन. तो खंयचे नाचतलो दांडलावयलें सवंग? तेची बदलीं दुसरो तयार जाला. खूब बरो नाचता. बाबुरायापरस बरो. पयर तेंची गॅर्रा-येसाय जाली.

मोगा : नाच्च. बाबुरायापरस बरो नाचपी मनीस आजून जल्मूचो आसा. तसो कोणूय जल्मल्यार म्हागेरुच जल्मत. बाबुरायाचो दोको मोडला तरी तो नाचतलो. कारण तो केन्नाच तुमचेखातीर नाच नासलो. तो नाचतालो म्हाजेखातीर. फकत म्हाजेखातीर. आयजूय तो नाचतलो. हांव तेका पळोवपाक येयलां.

बा : बाय, तूं आतां परक्याचें जालां.

मोगा : खबर आसा म्हाका. आनी हांवूय तुमकां सांगूंक सोदतां. हांव आतां तुमचें उरुंक ना. म्हाजेर तुमचो कसलोच अधिकार ना. म्हाजेर मोग करपाचो ना. आनी रागार जावपाचोय अधिकार ना. हांव तुमचेखातीर तुमच्या कुळागरांतलो खणून काडलेलो कावथो जालां.

बा : बाय, कितें उलयता गो?

मोगा : हांव फकत उलयतां. तुमी तें खरेपणी करून दाखयलां.

दादी : हय केलां. कावथो खणून काडला. तो जंय रोयला थंय रुजोनी.

मोगा : तुमकां जाय थंय तो रुजचोना. कारण तेका जीव आसा. मन आसा.

बा : बायऽऽ

मोगा : हय. हांव थंय नंदचें ना. आनी एक सांगतां, जेका मन दिलां तेकाच ही कूड दितलें, नाजाल्यार ही कूड सुण्यांक आनी गिदांक खावयतलें. बाबुराय म्हाजेखातीर मोडला. म्हाका तेचें फारीकपण करपाक जाय.

(दादी मारपाक दांडो उखलता. मोगा तो दांडो आपल्या हातीन सकयल काडटा.)

दादी, हो दांडो असोच दवर. केन्नाकाळा तुकां तुज्याच कपलार मारपाक उपकारा पडटलो.

(मोगा आयिल्लें तशेंच काळखांत मांडावटेन धांवता. बा ताचे फाटोफाट वता. दादी तांच्या फाटोफाट वचपाची तयारी करता इतल्यान मोगा आयिल्ले तेवटेतल्यान येसो येता. तो सामको काचाबूल जाला, पयलेच खेप त्याचे मुठीक सिगार ना.

येसो : दादी, दादी,

दादी : कितें जालां येशा? तूं– तूं एकलोच?

येसो : हांगा मोगा येयलां?

दादी : हय. येयलां.

येसो : (भितर नदर मारुन) खंय आसा?

दादी : भितर ना. मांडार गेलां जागराक.

येसो : खरें न्हू?

दादी : हय रे. हांव फट कित्याक मारतलों?

(येसो खुणावन देमूंक आपयता)

दादी : थंय काळखांत कोण आसा?

येसो : आनीक कोण? तुजो जांवय!

दादी : जांवय जाल्यार चोरासारको दडटा कित्याक रे?

(देमू येता. तो भियेला. ताच्या तोंडार आनी हातांचेर नाखटांनी बुचकायिल्ल्याचे आनी दातांनी घांस काडिल्ल्याचे दाग आसात.)

देमू : (रडत) दादी, तुज्या जांवयाची कितें दशा जाल्या पळय.

दादी : कोणे बुचकिला तुकां? माजरान काय वागटान?

देमू : तुमचे धुयेन, मोगान. पयले रातीक हांगा घांस माल्लो, हो हांगा. दुसरे दिसा, हांगासर. तिसरे दिसा हांगा बुचकिलो. मागीर हांगा गरे काडले. मागीर हांगा. फाटले धा दीस हें अशेंच चल्लां. कशेंच आंगाक हात लावपाक दिना. मारकी म्हस कशी आंगार येता. दादी, आंकवार आशिल्लो तोच बरो आशिल्लो. हांगचे थंयचे जागोर पळोवन उमेद भागताली. हें लगीन म्हाका भुजलें, सामके भुजलें. (रडटा.)

दादी : घोव मरे तूं? मागीर रांड बायलेसारको हात-पांय गळसणावन रडटा कितें? तुकां तुजे बायलेक मुठींत दवरपाक कळना?

देमू : मुठींत दवरपाक पयलें तें हातीन तरी मेळपाक जाय न्हू? दादी, ती बायल न्हू, ती उज्याची कायल. खऱ्यांनीच रागाक तें सामकें तुजें बडीर गेलां.

दादी : तुज्या सारक्या मेल्ले वारीच्या मनशाकडेन गांठ पडटकूच आनीक कितें जातलें? गायंडोळाचोय सोरोप जावपाचो.

येसो : दादी, देमू म्हणटा तें सामकें खरें.

दादी : तूं बगी गव रे येसल्या. मेल्ल्यांच्या घरांतलो खंयचे कडलो!

येसो : जांव मेल्ल्यांच्या घरांतलो. हांव सुटलों.

दादी : (येशाक) तूं गरजेभायर म्हाजी तकली फोडशी जाल्यार हांव तुकां सोडचोना.

देमू : दादी, म्हाजें कितें करता?

दादी : तुजें कितें करपाचें? कुळागरांतली विख्र-मोगरी हातीतोंडाक लाय. पेखतलें. पयलीं मोगाची खबर घेंवया. चुतड, जागराक येयलां! दांडलावयलें सवंग पळोवपाक! दोकोच घालतां मोडून. चल.

(वचपाक वळटा. देमू आनी येसो अनमनता)

देमू. : हांव येंव?

दादी : येंव म्हणजे? घोव मरे तेचो? मागीर असो भियेता कित्याक? (ताका बचकुलाक धरून ओडीत व्हरता. फाटोफाट येसो चलता. दादीच्या हातांत लापयांव आनी दांडो आसा. इतल्यान मुखावयल्यान बा खर्शेत येता)

बा : मोगा, मोगा मांडार ना.

दादी : मांडार ना? मागीर खंय गेलें? (येवजून) बरें आसा. खंय वयता तें पळयतां. फाल्यां जागराचो मांड दवरचे आदी पोराचें सरण दायटां. (सगळ्यांक) म्हाज्या फाटल्यान येतात.

(वाट बदलता आनी कुळागरा वटेन वता.)

(काळोख)

देखाव : चोवीस

(कुळागर. उशेणाचे धडेर, मांडावयल्या वाजपाच्या तालार बाबुराय नाचता. तो एका पांयान थोंटो जाल्ल्यान तसोच नाचता. थोटीच्या सवंगाभशेन दिसता. मांडावयलीं उतरां आयकूंक येता.)

एका पांयाचो थोंटी
माजी उमेद कितली मोटी

मेवळें रे मेवळें
चेडू तन्नें कवळें

(भितर दादीची उतरां आयकूंक येता. ''मोगा फाटीं सर. दोको मोडटलों.'' दोन - तीन फावट हींच उतरां मागीर पायांचेर दांडो मारिल्ल्याचो आवाज आनी तेसरशीं मोगाची एक किळांच ''बा गेऽऽ'' बाबुराय किळांचीवटेन पळयता. कांय वेळान मोगा एका पांयान कुटत कुटत बाबुरायावटेन वता. चराकडेन येत चर हुपता. उशेणावटेन वता. फाटोफाट दादी, देमू, येसो आनी बा येतात. एकीकडेन थारता.)

देमू : दादी, दादी तुंये खऱ्यांनीच मोगाचो दोको मोडलो. आतां तें थोटें जालें. म्हाजो संवसार थोंटो जाल्लो म्हाका नाकां.

येसो : तेच्या गळ्यांतलो मणी तुटोन पडलेलो वाटेर. हो पळय, म्हाका मेवळो.

देमू : जांव मणी तरी मेवळो. चल, येशा चल. (दोगूय कडसरतात.) (दादी आनी बा थंय उरता. दादीक पश्चाताप जावपाकडेन पावला. बा धुवेखातीर न्हिंन्नडल्या. दोगांय उशेणावटेन पळयतात. बाबुराय आनी मोगा दोगांय लागीं येतात. बाबुराय आपल्या हातांतलो मणी मोगाच्या गळ्यांत बांदता.)
(वाजोवपी पंगड आख्यानाचो समारोप करतात.)

मोडून पडले दोके गा,
तोडून पडले मोके गा
मोग करित्यो मोगीनो,
तुमची सासणाची काणी गा

मोग रुजिला झाडांनी,
मोग वाडिला माडांनी
मोग देखित्या लोकांनी,
हो प्रेमजागोर रचिला होऽऽ

(‘प्रेमजागोर’चे आख्यान सोंपता. वाजोवपी पंगड आरंभाचें नमन गीत गायता. सगळीं सवंगां मांडार येवन देवांक दंडवत घालून नाचतात.)

मांडाच्या गुरू गा तुकां दंडवत
सांतेरी माये गे तुकां दंडवत
देंवचारा देवा गा तुकां दंडवत
रौदिऱ्या देवा गा तुकां दंडवत
गांवपुरसा देवा गा तुकां दंडवत
सर्वय देवांनो गा तुमकां दंडवत
बसलेले सभेक गा तुमकां दंडवत

(सोंपता)

रंगमेळ, गोवा कला अकादमी निर्मित–
'प्रेमजागोर' (1999)...

कलाकार : काशिनाथ मयेंकार, शुभांगी बर्वे (महाले) आनी सपना नायक.
फाटल्यान कांता गावडे आनी वाद्यवृंद

दिग्दर्शक सतीश गवस, सयत नाटकांतले कलाकार, गावपी – वाजोवपी, तंत्रज्ञ आनी

आधुनिक कोंकणी नाटकाचें मूळ रुप म्हणल्यार 'जागोर' आनी 'रणमाले' हीं लोकनाट्यां. तियात्र हो लोकधर्मी शैलींतलो नाट्यप्रकार जागरांतल्यानूच विकसीत जाला. तियात्रा भशेन जागराचो विकास जातलो जाल्यार तातूत नवीं नवीं आख्यानां येवचीं पडटलीं. 'प्रेमजागोर' हो असोच एक प्रयोग.

'प्रेमजागोर'चें नाट्यशिल्प घडयताना नाटककार, जागराची मूळ उतरावळ, शैली, ताल आनी लय हांचेकडेन एकरूप जाला. आर्विल्ली कथा, जागोर ह्या आदिम स्वरुपाच्या लोकनाट्यांत बसयताना नाटककारान जागराचे मूळ धाटणेंक खंयच बादा हाडूंक ना.

अपुरबाय प्रकाशन

ISBN 81-86488-78-2